क्लॉक

निलबा अ. खांडेकार
निलबा अ. खांडेकार
निलबा अ. खांडेकार
निलबा अ. खांडेकार



ब्लॅक

निलबा अ. खांडेकार

सुरु प्रकाशन

ब्लॅक

निलबा अ. खांडेकार

●प्रकाशन क्र : ४

●संस्करण : २००६

●प्रकाशक :
सुरु प्रकाशन
दोंगरी, गोंय

●अक्षर संयोजक :
स्नेह ग्राफिक्स् ताळगांव, गोंय

●मुखपृष्ठ :
अमृत गायतोंडे
पणजी, गोंय

●छापपी :
सिध्दांत प्रिंटर्स,
अस्नोडे, गोंय

●मोल : रु.१५०/-

Black

(poetry)

Neelba A. Khandekar

●

दुश्टांचो कलंक धुंयता धुंयता
म्हेळे जाल्ल्या ह्या हातांनी
अजून घडपाची आसा
मानवतेक थाऱ्यार घालपी
सैमीक मांडावळ

म्हजे लेखणेन धडधडून वयतलो
हो वावर,
ह्या आत्मविसवासाक ...

वळेरी

वळेरी

ऋणाई

- बाबू
- भौ. तुकाराम शेट
- डॉ. किरण बुडकुले

सैम क्रम

व्हड रातीच्या सपनांत बेश्टोच कुशी बदलीत रावच्यो
तशीं झाडांची पानां सळसळटात
पानाय सपनेतात
आमुरपिक्या सपनांनी सांडून वयतात
तन्र्या पालयांनी
तन्र्या पालयेंत चंवर फुलोवपी भाराचो गंध
आनी गंधांत वाडपी वंशगर
वा सुकण्यांचो घराबो जो खिदळत रावतलो
मळब पांखट्यांनी घेवन श्वासांत भरसून
हें झाडाचें सपन हांवें म्हज्या मनांत सोडलें
तेन्ना दोळ्यांची सुकणीं पांखटी फडफडायत उडून गेली
आनी झाडांक जाग आयली.
तेन्ना सांवन पानगळटी सुरू जाली ...

हांव ओडून घेता म्हजे म्हाका म्हज्याच वैश्विक खोलायेंत
एक लांबलचक रिकामेपण म्हज्यांतलें
सोदीत रावता आपलेंपण
तेन्ना आंगार फुटील्लो आसता कांटो शेळ्या घामा वांगडा

कलींगाचे मातयेवेल्यान घुमता दर्प मनशांच्या मांसाचो
दया न्हंयच्या उदकाक रगताचो
आनी तांबड्यागुंज मळबांत आजून घुंवतात गिदां
आपली अमानवी भूक घेवन
हांवें पळयलो,
कलींगाचे रणभुंयेर तुज्यांतलो काळीज नाशिल्लो मनीस
आनी हांव खूप अस्वस्थ जालों
तेच अवस्थेची गाज
ओसाडीभशेन अजून आपटता म्हज्या मनार

सम्राट,
हांवें तुका तुज्यांतल्यानूच कोसळटना पळयला
रक्तरंजित झुजामळार
तुजी असियष्टी तुजे सावन पैस उडोवन
मानवतेखातीर उलो मारतना
'न्हय, ही जैताची वाट न्हय,
मनशांची कत्तल करून गांवा आनी नगरां
मसंडीत पुर्नरूपीत करून
मनशांक जिकूंक शकचेना
म्हजे अशोक नांव तेन्नाच सार्थक जातलें
जेन्ना हांव प्रजेचो शोक पैस करतलों.'
तेन्ना तुजो आवेश
आनी रगताक तानेल्ली तुजी उग्रताय
कलींगाच्या किंळाच्यानी थरथर नासतना भरसून गेली
'बुध्द्म शरणम' च्या सर्वस्पर्शी घोषांत ....

हांवे गुजरात पेटलेलो पळयला
रक्तरंजित पंजाब पळयला
मुंबयचें काळीज दूकांच्या झरींनी गळटना पळयलां

पांचव्या पांचव्या दोंगर- दोंगुल्ल्यांनी सांडलेली
सोबीत काश्मीराची सपनां पळयल्यात
सांप्रदायिक दंगलींत एकमेकांची घरां पेटयतना
मुळतत्ववाद्यांचे गुडयाभशेन जेतान फडफडपी
रगताचे हात पळयल्यात
पूण पळयलोना
चंड अशोक, उग्र अशोक
सगळे काबार करून उबो रावपी
विश्वशांतीच्या प्रस्थापनेखातीर

अशोक,
मानवतेक दिका दिवपाच्यो
तुज्यो निर्धारीत वाटो
अजून म्हज्या गळ्यांत फारोवन आसात
त्यो मुखार सरूंक शकनात
कित्याक तर,
म्हज्या कुशेसाक उकलून धरपी म्हज्या आवाजान
म्हज्याच गळ्यांत जीव दिला
चिमटीभर थुकयेक काळीज विकतना पळोवन

अशोक,
म्हज्यांतल्या मोन्या जाल्ल्या कवीक
इतलो लाचार हांवें केन्नाच अणभवलोना
हागसल्ली घरां मनशांसकट जळटना
बायल - भुरग्यांच्यो हुयेली कानांत गाजतात
दारां भितरली भिरांत मोन्यांनी थरथरत आसा
आनी हांव निर्वासीत तोंड वरशें करून
फक्त पळोवक शकतां
मनशांतलें मरण
म्हज्याच देशाचे मातयेर ......


ह्या दीसांनी

ह्या दीसांनी जेन्ना
केन्ना-केन्ना खूश जायन दिसता
तेन्ना हें येवजून खूश जाता
कितलें बरें की हांव दोंगरेवयलो
आनी वास्कोचो मारसेलीन दोंगरेवयलो न्हय
तशीं दोंगरी अयोध्येंतल्या ६७ एकर
विवादित भूंये भितरूय पडना
मीर जाफर, जयचंद आनी कलूषा हांकाय
दोंगरेर कोणूच वळखना
तसो सुशील शर्माकूय.

सैमान दाखयला म्हाका म्हज्या जिणेचो नकाशो एकदां
तरीय खंयच्याय कोंब्याच्या सादान उजवाडटा जाल्यार
हाच्याकूय बरी गजाल दूसरी आसूंक शकना
राकेसाचो आत्मो तृप्त करपाखातीर
हांवें व्हावयल्यात रगता आंगां - पांगातल्यान
डेहराडूनाक
तशें डेहराडून आनी दोंगरेक कांय एक संबंध ना

ह्या दीसांनी हांव खूश आसा
हांवें पळयलीना म्हण, प्रतिष्ठेच्या झोपाळ्यावेल्यान
निसरून पडटना आनी संस्कृतीची म्हाकाय जाळां
मांडयेर घेवन बाशिल्ली मालिका शेरावत
हांवें पळयलीना म्हण प्रसिध्दीचो स्टंट
मिरोवपी राखी सावंताचो अतिरेक
हांवे पळयलीना म्हण पैशांच्या पेजापोंदा चिड्डल्यो
तरन्नूमच्यो गच्च राती

ह्या दिसांनी जेन्ना केन्ना खूश जालां,
हांव बरोवपाक घेता एक सोबीत कविता
शब्दांची शिरंतरां एकठांवन
भितर अणभवांचो घुसो भरुन
शून्यांत विस्तारत वचपी
गुरूत्वाकर्षांतल्यान सूटपी अस्वस्थताय घेवन
स्वतांतल्यान समष्टींत विरघळून वचपाखातीर
म्हणोनूच हांवें सांगलेंना केन्नाच
म्हजी कविता न्हय बलत्कारीत बायलांचे प्रश्न
मांडपाचें व्यासपीठ
सैम आनी मोगाक हांव भेश्टोच बांधून दवरता

आयज हांव खूश आसा
आयज दोंगरेर सांवन हांवें पळयलें
मणिपूरच्या सशस्त्र दलाच्या अत्याचारा आडचें
शर्मिलेचें पांच वर्सांचे व्हड उपोषण
हांवें पळयले भ्रश्ट यंत्रणे आड
सत्याचो आवाज उठोवपी बिहारी पूत सत्येंद्र दुबे

कितलें बरें दिसता
आफ्रिकेंतले काळे किट्ट नागडे- उगडे भुरगे
भारतांतले न्हय

कितलें बरें दिसता ह्या दीसांनी
कि म्हजो देश भारत
आनी रोडेशिया, कोंगो, सायबेरिया भारतांत ना
कितलें बरें दिसता
कि हिरोशिमा आनी चेरनोबिल
हांच्या परिणामांच्या किरणोत्सवा सांवन्

हांव दोन पांवलां पयसूच आसा
११ सप्टेंबराची अमेरिका
कॅटरीनाची अमेरीका आनी रिटाची अमेरिकाय
भारतांत ना
भारतांत फक्त भारत आसा अमेरिकेच्या दडपणांतलो

खूश जावपाक आमचेकडें खूप माल आसा
दूख आमच्यावांगडा सतत आसा
घडये मरणान आमेटच्यो घालपाच्या पुरूमेंताचे
म्हज्या तकलेंत सायबर मातयेच्यो लगोऱ्यों
आनी क्रमाक्रमान विकसित जायत रावपी
ह्यांगसल्ले निर्वासितांचे प्रदेश

हांव अल - कायदा, लष्कर - ए -तोयबा
वा इस्लामी इंकलाबी महजचो प्रतिनिधी वा समर्थकूय न्हय
ह्या दीसांनी खूश जावपाखातीर
ही सामकीच धांकटी गजाल जावंक शकना



भारत

तुवें रूजयल्ल्या मानवतावादीं मुल्यांचे
सरण पेटट्ना पळोवन
हांव कोसळत चल्लां म्हजे भितर
कशें व्यक्त करूं म्हजें दुखणें
जाचो अणभव हांवें घेतला तुजेवयल्यान म्हज्या देशा

हांव सोदता नैतिकता, विसवास, सहिष्णुता आनी स्वाभिमान
तुज्या बांटत वचपी संस्कृतींत
तुज्या नाडत वचपी रेसपेंदांत
वसाहत वादाच्या पांघरूणांपोंदा चालिल्ल्या उस्कारामेरेन...

तुज्या नांवावेल्यान जेन्ना ताणीं सूरवात केली
तेन्ना दुष्यंताचोय संदर्भ घेवन ते चघळयत रावले
घडये तुज्या सूरवातीच्या वर्सांक
आनी जेन्ना भारत सापडल्याचें समाधान
जवाहरलालान व्यक्त केलें
राष्ट्रीय एकचाराच्या शब्दांनी
अहिंसेन सांडयल्ल्या रगतामेरेन
तेन्ना म्हजे पुरते तू फक्त एक जमनीचोच
कुडको म्हण उरता
विकपाचो, लुटपाचो, शासन चलोवपाचो,
कोलंबसाच्या उमळशीकेचो

हांव काळखाच्या धुल्लान भरिल्ल्या हजार मुखामळांतलो एक
म्हज्या कपलावयल्यान व्हांवपी घामाच्या व्हांव्याच्याकूय
ह्या देशाची खंयचीच न्हंय व्हड न्हय
खंयच्याच धर्माचो खंयचोच ग्रंथ
म्हज्या बंद आनी घाळ वोठांतल्या मोनेपणाच्याकूय पवित्र न्हय
ज्या सूर्याच्या घोड्यांचे पाय ह्या भूंयेर पडले
ती भूंय सगळ्यासैत निर्वासित जाली
मागीर घोड्यांचे किदें जालें तें खबरना
पूण सूर्य मात बंदखणींत पडलो
सत्तेच्या काळखांत

म्हज्या देशा,
तुजें सुवर्ण युग चाळटना हांवेय मांडलो तुका नव्यान
खंयचोच आयोग बसयनासतना
मनीसपण आनी आवाजाच्या शीमेकडें मोने जाल्ल्या
अनुत्तरीत समस्यांकडें हांव पळयता
शेतांच्या मातयेंत मळब रूजोवपी दोळ्यांनी
जांचेकडें भुकेशिवाय आनी कसलेच
प्रश्न नाशिल्लें तांच्या आवाजांनी
जांका मरण हेंच मुक्ती म्हण खबर आशिल्ली तांच्या समर्पणांनी
जांका कश्टांबगर दूसरे कामूच नाशिल्लें तांच्या घामाच्या लोटांनी
त्याच आवाजांनी त्याच समर्पणांनी
आनी त्याच घामाच्या लोटांनी
मळबाचें आत्मसमर्पण विजांनी सळसळायत
मातयेच्या ओढीन घडटना



दोंगरेवयल्यो कविता - १

आयजूय याद जाता
पारपोळीच्या दोंगरावयल्यान हॅंड ब्रेक ओडून धरून
तकलेर जोळोव घेवन देंवतना.....
सटी देंवळाची चडटी चडटना
आसाळ्या खातीर ....
दामोडच्या खाजनांत आदेसांचे आदेस वोणोव घालून
मेरो घालतना .....
इतल्या वर्सानीय बदल घेवं नाशिल्लें तू
म्हज्या वांगडा चलता
सोंपोन गेल्ल्या म्हज्या भुरग्यापणांतल्या यादींतल्यान
झोपा काजीकडें काजू पूंजावक
वारो आयलो म्हण्टगीत चाक्याच्या घोटांक तांकांत
माथ्यावयल्या भोऱ्याक थीर धरून
रस्तो पार करता घामाच्या पावळ्यांनी
शेरापीनाल्या दूरगाक भोरो लायतना
आनी एक सुस्कार रिगयतना
तू पीता सिगल च्या चूडूलीं
सांगता म्हाका तू एक - दोन गजाली
तोंड उगडी नासतना
हांवूय आयकता कान उगडी नासतना
खूप वर्सांच्यो
म्हजी ताकीद आनीं तुजें गणोवप
तू म्हण्टा हांव मोठो च्यापटर
हांव म्हण्टा तू पेनोळें
तू भोंवपाक सोदता सुरमूस गजालींनीं
खूप वर्सांच्या
बदलत्या संवसाराच्या

पारपोळीच्या
सटी देवळाच्या न्हिदिल्ल्या रस्त्यांचेर
सगळी रात
सटीच्या देवळाकडें काजी कापिल्ल्या उजाड मळार
प्लॉटां खातीर नीस मारिल्ल्या दामोडच्या खाजनांत
तुजे सांवळेंत हांवे नव्या विचारांची
नव्या उमाळ्यांची तेंगशी गांठची
आनी तयार करचे एक जग
सटी मायेच्या पायतळां

खूप वर्सांनी मेळील्ल्या तुका
हांव किदें तरी भेट दिवपाक सोदता
उर्राकाची बाटली वा
इडयांचे बंडल तुज्या घोवाखातीर
वा सुचोवंक सोदता
सतावन खुंटत रावपाच्यो नव्यो येवजोण्यों
वा खूपशीं खेळणी
तुज्या वाडिल्ल्या भुरग्यांक ....

हांव सगळें जग दवरूंक सोदता
किरवटीक हुमकळपी तुज्या बोटव्यांत
सगळ्या संवसाराचें जनेल उगडचें पयलीं

आमचेकडें कोणें बोट दाखवचें
अशें म्हाका केन्नाच दिसना
तरीय तुका ' ना' म्हणूंक म्हाका जमचेंना

थंय, सकल एक असुरक्षित समाज आसा !



मर्ण मनीसपणाचें

इश्टा,
काश्मीराक वयता जाल्यार
म्हजो एक एकाद व्हर
काश्मीर लिबरेशन फ्रंट
मुजाहिदीन
नाजाल्यार व्याघ्र कुळांतल्या वाघांक सांग
काश्मीराच्या दोंगर - दोंगुल्ल्यांच्या कुशींतल्यान मारिल्लो फार
म्हज्या शब्दांच्या काळजाक लागला
आनी म्हाका म्हजी कविता
आपल्याच रगतांत कोसळटना दिसल्या

हांव अजून विसरूना,
कारगिल कारवायांक पुर्ती दिवपी
किश्तवाड, छतिलिंगपूर, बंदहाम, चंपनारी
प्राणकोट, ढाकीकोटांतलें फारपेट.
तशें मरण कोणाकूच चूकना
आनी हांगसर कोणूच रावपाक येवंकनात
पूण मरणापयलींचें मरण
सगळ्या काळजाक पिंजून येता
तेन्ना फांटल्या - फुडल्या संदर्भांक अर्थ उरना
आपल्या रगताचो लेगीत
तेन्ना मांडोवन येता एकशेल्लें
तांबडें - तांबडें मळब दोळ्यांत
घडये सगळें हुलपोन उडोवपाक
ॐ पर्थीय, शांको अशाहराच्या विचार सरणींतल्यान

गरमेक माज चडटा
म्हणोनूच गरमी व्हावूरता अणुबॉम्बचें मुखामळ घेवन
आनी मागीर एक वाठार आपशीच मूठीच्या आतंकाभितर येता
सामान्य मनशाचे सदाच मरण जालां
तेन्ना मळबाकडें पळोवन दुकां गळोवपा बगर
आनी कसलोच पर्याय उरना
आपलो स्वार्थ सादयतना आपूण दूसऱ्याच्या
कुशेंसावयल्यान चलून आयलां
हाचेंय उरना भान
आनी स्वाभिमान तर जागचना.
खेळपी खेळत आसतात
दर एक खेळीच्यो युक्त्यो येवजून

इश्टा,
काश्मीराक वयता जाल्यार
थंय खंयच्याच माचयेवेल्यान भाषणबाजी करूं नाका
आड मेजावयल्या चर्चासत्रांत भागी जावं नाका
फक्त एकूच सांग,
काश्मिराच्या सोबित दोंगर - दोंगुल्ल्यांतल्यान
मारिल्लो फार
म्हज्या शब्दांच्या कुशेंसाक लागला
आनी एका मनीसपणाक मरण आयलां

घडये आतां तुमी मोकळे आसात
१५० लोकांचे अपहरण जीव
आरमाच्या तेमीर दवरून
कंदहाराक वचपाक.



महानिर्वाण

तू कोण हांव नकळो
घडये कोणूय आसत वा नासतय
आसत जाल्यार घडयें
संवसार निर्मितीच्या खीणांचे प्रायच्छित
मदिरेच्या एका एका घोटा वांगडा
रिगयता आसतलो शितीदा भायर जावन
म्हण तुजो संवसार आनी तू
पैस - पैस जायत चल्ला

तुवें म्हाका हात दिले
घडये हांवें ते हालयत रावचें हें येवजून
पूण हांवे तुज्या विश्वासाची गची अंदीली
हांवें रक्तपात केलो
केन्ना इस्त्रालयांत
तर केन्ना व्हिएतनामांत
केन्ना आफ्रिकेंत
तर केन्ना हिंदूस्थानांत
मनीसहीन कृतीनी मळबाची तेम आपणायली
घडये तुजेच खातीर
म्हणोनूच हेंच निष्फळ हात
समग्र क्रांतीखातीर वैर करचे पडले
मार्क्स, लेनिन, आझाद, सुभाष
हांचे बलिदान चडोवनूय

तुवें म्हाका पांय दिले
घडये वटवटे काडून जमनीर गडेगच्च रावन
मळबाक हात तेंकोवचे, हें येवजून
पूण त्याच पायांनी हांवें मस्तून उडयली
मानवतेची नीती मुल्यां
आनी उबें केलें पावला पावलांत आसूरी साम्राज्य
म्हजे सगळे वटवटे हांव तुज्या पायांर समर्पित करता
तुज्या आशिर्वादान
निरापराध्यांचें हत्याकांड करून
हांवें देश पलायन केले
ओसामा, दाऊद, मसूद हांच्या अंडरवर्ल्डांतल्यान

तुवें म्हाका दोळे दिले
घडये काळखांतल्यान उजवाडाकडें पळोवचे हें येवजून
पूण हांवें काळखांतूच सगळें केलें
म्हण पळोवक शकलो मनीस जातींतलें जीवें मरण
तरीय खुपशें पळोवन तुवें पळयलेनाशें केलें
तुज्या पायार सांडयल्लें रगत लेगीत
आनी त्या मोन्यापणानूच कोंमेस जालो
तुजे खातीरचो दूस्वास
श्री विचित्राच्या जात्रेंतल्या अखेरेभशेन

तुवें म्हाका तकली दिली
घडये ब्रम्हाचो बोध घेवन
हांवें प्रतीरूप सर्ग घडोवचो
विष्णूच्या मार्गदर्शनान संवसार खीण चघळयत रावचे
वायट बऱ्याचो अणभव गांठीक बांधून
पूण हांवें महेशाच्या तिसऱ्या दोळ्यांतल्यान उप्रासल्लो
प्रलयूच आपणायलो, म्हाका जाय तसो
आनी विध्वंसाच्यो सगळ्यो दिको मेकळ्यो केल्यो

हिरोशीमा, चेरनोबिल, भोपाल गॅस, ट्रेड सेंटर
हांच्या आधारान

ह्या सगळ्यामदीं तुवें म्हाका काळीजूय दिलें
पूण संवसार खीण भरतना
तुजी सृश्टमय नदर काळजांत देवलीना
आनी तुजेंय कुशेंस उबंतराच उल्लें
म्हजे कडलें सगळें तुजें म्हण
तू म्हजेकडे एक - एक मागत रावलो
म्हजो सुशेग लेगीत
आनी हांव दियत रावलो
म्हजो तूच उत्तराधिकारी म्हण

संवसारांतले सर्गखीण रिगयतना
हांव पळयतां तुका
नैवेद्याचें निमित्त सादोवन
फुलां, फळां आनी मिठायेंत मुंगरोन
घांटीच्या तालींत सुस्कारतना
उंदरार बसून पोज मारतना
कमळांत बसून फुलतना
पिंपळाच्या पानार बसून झेलण्यो मारतना
तकलेर फणां घेवन क्षीर सागरांत पवडतना
विटेर उबो रावन म्हज्या संवसाराचे
बारा ब्रेस्तार पळयतना
तुजें अस्तित्व आयज हांवें कायमचेंच मेळ करचें म्हण
हांव तुका फाट करून वोणोव घालून रावला
देंगा फांकारून
तुज्या महानिर्वाणाच्या दबाज्या खातीर
घडये आसत जाल्यार ......



स्वातंत्र्य

जरी हांवें पळयलेंना स्वातंत्र्य झुजाचे दीस
हांव अणभवूंक शकता
उबो जीव तोडपी ते खीण
स्वातंत्र्य संग्रामांतल्या समर्पितांतलें
सर्गाच्या आवड्यांचे

खऱ्या वा खोट्या इतिहासांतल्या
आडवादांत वचं नासतना
हांव पळयता ह्या भूंयेचो येस्ताद
म्हाका दिसनात,
वज्रकठोर मनां
स्वाभिमानाचें व्हडपण
आनी भूंयेखातीर जाल्ली पिशी जीण
म्हाका दिसना म्हजेखातीर आदर्श जावपी जीण
म्हाका आयकूंक येना
शब्दांतलो आकांत

जालियनवाला बागेंतल्या बांयच्यो
देशप्रेमाच्या त्यागांतल्यों
काळीज पिंजपी त्यो हुंयेली
झुजाऱ्यांच्या गळ्याभोंवतणी आवळत वचपी
ताणेल्ले ते निमणे उस्कार
आनी रगताखातीर मारिल्लो
स्वातंत्र्य संग्रमांतल्या महानायकाचो उलो

हांव आयकोंक शकना
काय ताचो आवाज आयकोपाचें

स्वातंत्र्य म्हाका ना ?
आयजूय हांवें आयकलेंना
निरापराध्यांचें हत्याकांड
वासनाकांड
१४४ कलमाच्या चौकटीत बंदिस्त जाल्लो
दंगल ग्रस्त वाठार
हांवें आयकलोना आवाज
गोध्रांतल्या जातीय दंगलीत
उध्वस्त संवसाराखातीर हडूडें बडोवन रडपी
मानवतावादाचो

हांवें पळयलोना
मनशांतल्या हीन कृतीचो निशेध करतना
तांच्या संवसारावयलें मळबायेदें दूख पळोवन
भारतीय लोकशायेच्या दोळ्यांतली दुकां

हांवें जाप काडलीना
तरनाट्यांच्या वाडट्या
आत्महत्येचें प्रमाण पळोवन

हांवें सगळें पळोवन
कांयच पळयलेंना
हांवें सगळें आयकोन
कांयच आयकलेंना
आनी उलोवक तर हांव कांयच शकना
स्वातंत्र्याचो मूलभूत विचार मांडपी
त्या तीनूय माकडांची तीनूय रूपां
कोर्ट कचेऱ्यांनी बंद केल्यात
बेबंद लोकशाहीच्या वकालतीन
हें कसलें स्वातंत्र्य भोगता हांव
अन्यायाचें सत्र काळजांत दडयत रावपाचें

अपमानांचे लोट मनांत सोशीत दवरपाचे
आनी जळत रावपाचें
शिरंतरांतल्यान
आपल्यातूच
आपल्या नदरेंतल्यान पडं सर
हांगसर कसलेंच स्वातंत्र्य ना
सैमीक जीण जगपाचें.



पुस्तकां

पुस्तकांनीय आसता गच्च भरिल्लें
एक सनातन मलब
म्हणोनूच उतरांच्या कूपांनी उमाळून येवन
तें घसघशांनी बरसत रावता
तेन्ना मात आपणें धरतरेचें रूप घेवन
पावसाची पावलां रिगोवपाचें सामर्थ्य
दाखोवचें पडटा, शब्दांन शब्द मुंगरून
नव्या समीकरणाखातीर
नाजाल्यार पुस्तकां आनी आपल्या आसपांतल्या
जाणिवेचो संदर्भ खंयच उरना
आनी उतर मागीर उतर उरना
उतर बोतर जाता
म्हण दरेक उतरांतल्या गाभ्यांत वचून
इसकाटावन मोकळीक सादपाची आसता
नाजाल्यार तीनूय काळांची नोंद
मागीर एक फक्त फटास जाता.

पुस्तकाचो आसता आधार
अपेक्षित पावलांच्या दिकेन
घडये उजवाडाचीय सुलूस घेवन
तेन्ना आपणें फक्त मनाच्या अवकाशांत
घोंटीर बांधपाच्या तयारीक लागोन
अवकाशाकूय पालय आयिल्ल्याचें पळोवपाचें आसता
पालय नव्या रूखाची
घडये नव्या संस्कारांची

नव्या विचारांची
आनी नव्यान जाणवल्ल्या संदर्भांची

पुस्तकांकूय आसता स्पर्श आनी दृश्ट
पूण त्या खातीर आपणें आपलें मन
तयार करचें पडटा
संवेदनांच्या साच्यात घालून
मागीर पुस्तकां कशीं शिंवरायतात
चारुय रुतुंच्या चारुय सुवाळ्यांची खोशी
हें आपणें अणभवप आसता
पुस्तकांत काळीज दवरून.

काळखांतूय पुस्तकां आपले दोळे उगडे दवरतात
आनी कोणाचोय हात धरून पळून वयतात
कोणाबरोबर रिघचें
हाचें भान दवरीनासतना

पुस्तकां आधार दितात
पुस्तकां दूःख दितात
तरीय तीं येयत रावतात
बदलत्या हवामानाक अनुसरून

पुस्तकांच्या मळब मनांक शीम नासना
तेन्ना कोणे वादांत वच्चे न्हय
निश्काम कर्मयोगीच्या.
जंय सांवन यादींचे इंधन घाळ पडटा
थंयच्यान पुस्तकांचे फुडारपण जाणवता

पुस्तकां रान रूखां पेडांचे
आपल्या मतींतल्या जिलकूटांचे तर न्हयच

म्हण आपणें कांय वोगोत
भोंवडेकार जावन रूखांच्या सांवळेचो
आडोस घेवन बसपाचें आसता
शब्दातल्यांन उजवाडाकडें वचपाखातीर
तेन्ना घडोव येता साक्षात्कार
'बुध्दम् शरणम् गच्छामि' च्या सर्वस्पर्शी मंत्रघोषाचो
गुरूत्वाकर्षणाचो

पुस्तकांय रचयतात आपलेंशें एक जग
त्या जगांत आपणेंच आपल्या नदरेंत
ओलसाणीचें सपन पळोवपाचे आसता
काळजांत सूर्याचे शेत पिकोवपाचें आसता
उरता जाल्यार जीण वाचून जाल्ल्या
पुस्तकाच्या पानार दवरपाची आसता
कानफोडीच्या पानांभशेन
अशीं जीण पयलीं सोंपता
आनी फाटल्यान पुस्तकां वाचपाचो ध्यास उरता
चि
रं
त
न



सुर्य

... आपलें मडें आपल्याच खांदावेल्यान व्हावयतना
हांव तुमकां पळयतां युगां जालीं
हांवें हेवूय पळयलें
तुमच्या जितेपणांतूच तुमचें म्हाश्राध्दकर्म
आनी तुमच्यो अस्थी
खंयच्या तरी पारीत प्रस्तावांत सोडटना.
अजून शाबीत आशिल्ली तुमची शिरंतरां
विनाशाचे विखाणू पोखरचे पयलीं
चाचपून घेयात आपल्यांतलें नेणारपण
तुमचें गिन्यानूच तुमकां घेवन येतलें
हिरोशिमाच्या अस्थींतलो पुराय मनशाचो डी. एन. ए.
शाणेपणाची दोन उतरां जोकलेलो
मनाची भूरळ मिटयल्लो
तुमच्या पुनर्वसनांत संवसार तोच आसतलो
तेच मळबांतलो तोच सूर्या
तेंच वारें - तीच माती.

'मरण जिवीताचो अंत' ही तुमची भावना आसत
पूण 'मरण जिवीताची प्रक्रिया' ही म्हजी धारणा
आनी धारणा भावनेच्याकूय गडगंज आसता
म्हणोनूच तें ध्येय उबें करता
तुमी अजून कांयच केलें ना
ही जरी खंत आसली
तरी सुरवात तुमकां खुशालकाय दितली
आपणें फक्त आपली मूळां मातयेंत मुंगरीत वचप
आनी वाडटा वाडटा मळबांतलें रितेंपण वेंगेंत घेवप

दोन हजार वर्सां जाली
आशेच्या गजालींचेर तुमचे दीस परततात
खूरसावयलें मरण भोगूनूय
'अज्ञान पैस करात
सैमाआड वचूं नाकात
असद भावनेचो प्रचार करून
जनगंगेचें जिवीत वायट करपाचे हांवेस बाळगूं नाकात
दियात मूठमाती कर्मविकापाच्या 'सिध्दांताक'
येवजिल्यार मळब मुठींत येता
जाल्यार अशेंच जातलें आशिल्लें.

हांवें पळयला
आपल्या शिरंतरांत मरण घेवन भोंवपी अश्वत्थामो
मरणाचो फांस गळ्याभोंवतणीं आवूळपी पॉल बर्जमॅन
मरण लिपोवपी हिटलर
मरणाची टिंगल उडोवपी ऍंड्रे चिकेटिलो
मरणाची भिक मागपी सद्दाम
आनी आपल्याच दोळ्यांआड मरण वेंचपी ओसामा

दरेक काळखा फांटल्यान उजवाड येता
ह्या फटाशींत तुमी सुखावचें न्हय
सुखावचें न्हय तुमी
चार वेद, स शास्त्रां, अठरा पुराणां, चवदा विद्या, चवसष्ट कला
हांका आदीरुपाच्या कल्पनेंत घालून
सुखावचें न्हय तुमी चौऱ्याऐंशी लक्ष योन्यांच्या भोंवतडीक.
चंद्र रातीक झवलो म्हण सुर्याचो जल्म जाता
हे गजालींत तथ्य ना
त्या खातीर मळबायेद्या दादल्याची गरज आसता
आनी धरतरेयेद्या गर्भाशयाची

सुर्य उदेतलो आनी अस्तमतलोय तुमच्या दोळ्यांत
तेन्ना कितलेशाच समदीरांची
घनगंभीर गाज आसतली तुमच्या काळजांत
काळी रात हांसत दडटली
तुमच्या दोळ्यांतल्या कवडूलां पोदां...

... तो उलयतालो
आवाज खांदार दवरून
तीर : जो मोग - मोयपास, सत्य आनी सपनांक
एकेच नदरेन पळयता

ताची जमता तितली उतरां
हांव म्हज्या भेज्यांत उडयतालो
मिलेराभशेन
ताच्या फाटल्यान शेकड्यांचे एक - एक युग कोसळत वयतालें
मनीस जातीच्या संस्कृतीचें
ताचो मुखावयलो संवसार इल्लोसो आसा
हाची जाण आसूनूय

हांव कितलो तरी वोगोत
ताच्या खोमसावयल्या सूर्याचें चित्र तोखेत आशिल्लो

उजवाड आनी काळखाच्या दरम्यान
हजार भूजांच्या वेदनेउपरांतचो जागो हांवें कवितेक दिलो
आनी हांवें म्हजे म्हाका जमनींत रोवन उडयलो
आनी खाण्याखातीर मोडून पडिल्ल्या बांधार उबो रावन
हांव वाट पळयत रावलो
म्हज्या उदेंवपाची



हात

पयलो हात उजवो
सकारत्मकतेच्या पर्वणीचो
हात डावो
अठरा विश्वांचे मळब सांसपूंपी
हात भावनिक ब्लॅकमेलिंगचे
तरीय हातीन जिवीत मडोवपाचें
हातीन जिवीत नडोवपाचें
म्हणोनूच हातीन सत्ता बळकावपाक मेळटा
हात दाखोवन
आपलो हात जगन्नाथ

हात फक्त काम करपाक आसतात
अशें न्हय
आधार दिवपाकूय आसतात
दुश्टांचे हात तोडपाकूय आसतात
हात दिल्यार 'एढस' जायना

हात, आवयक कोंको दाखोवन
बापायक सलाम मारपाक नासनात
पांयां पडूंकूय नासनात
अन्यायाची गची अंदूपाक
फटकिऱ्यांची मुस्कटां फोडपाकूय आसतात

हात भोंवडता केंसांतल्यान
तेन्ना मळब सामकें सकल येता
आनी चंद्र वेंगेंत मुरगट्टा
नक्षत्रां तोडटां तोडटां
जोडटां एक नातें सासणाचें
एक हात आमच्या गांवच्या व्हडले आईचो
आयदणां घासून राठ जाल्लो
तरीय आपल्या हातीनी संवसार बिखरपाक दिलोना
घोवाच्या फाटल्यान

एक हात पूणीचो
जाणें पिवन उडयलो अर्धो शेकडो
उर्राकाच्या ग्लासावांगडा

हातींचोय आसता एक धर्म
घडये दाखय - लिपय करपाचो
हातीच्या रिस्कांनी
सौरमंडल घुस्पोवपाचो
फांल्याक अंदून
खळांतल्या आमलेभशेन
हातींचो धर्म जो भंग करता
हातींचे सौंदर्य जो विभाडटा
तो पश्चातापांत बुडटा
तेन्ना कोण तरी मागता ताचे हात
'ये हात मुझे दे दो '

हातींचोय आसता एक इतिहास
ताजमहालाचें काम केल्ल्या कारागिरांचो
अजिंठाच्या कलाकारांचो,
गिलोटिनांत घातलेल्या क्रांतीकाऱ्यांचो
त्या इतिहासाच्या आधारानूच आपणें आपलो वर्तमान संवरपाचो आसता

हात बोल्सांत आसूं वा भायर
आरमाच्या घोड्यार आसूं वा हातकडयेंत आसूं
हात, हात आसता

जसो म्हाका दिसला चिलीत पाब्लो नेरूदाचो
बांगलांत तसलीमा नसरीनाचो
स्पेनांत लोर्काचो
पंजाबांत पाशाचो

हांवें पळयला एक हात सोक्रेटिसाचो
विखाचो पेलो तोंडात रखयतना
हांवें पळयला एक हात एकलव्याचो
आंगठ्या वांगडा एक धनुर्धर सोंपतना
आनी आचार्यांच्या नदरेंत
एक म्हागूरू कोसळटना

हात भानगडींत आसूं वा दंगलींत
हात जुल्मांत आसूं वा हत्येंत
हातान सदांच काश्टी सुकी दवरपाचे यत्न केल्यात
म्हण हातांक दोष दिवन कांयच फायदो ना
कित्याक, त्याच हातांनी बरयलां
ह्या देशाचे संविधान
भारतीय दंड संहिता
आनी स्वातंत्र्ता संग्रमाचो इतिहास

जंय आपलो हात पावता
थंय मेरेन आपलो हुक्म चलता
मुखावयलें सगळें हातीभायर आसता.



हवामानाविशीं -

(चर्चेचो एक वांटो)

हवामानाविशींची आमची भासाभास सुरू जाली
जाचेविशीं आमकां सगळ्यांकूच उमळशीक आशिल्ली
तशें पळोवक गेल्यार हांव आनी आमचेपैकी कोणूय
हवामानाविशीं किदेंय उलोवक शकतात
आधार आनी आधाराशिवायूय
घडये तर्कानूय
मागीर करूं तुमी तुमचो तर्क, शास्त्रशुध्द

हांवेंच सुरवात केली कपलावयलो घाम पुशीत
गरमी इतली जाता कि पावस पडटलो नक्की
तशें हांवें पळयलां सपन
मळबभर कुपांचें
दोळेभर पावसाचें
म्हाका घेराव घालून म्हज्या सरभोंवतणीं
म्हज्या शिरंतरांनी झडटना
म्हज्या विचारांभशेन
आनी जीवसृष्ट परत संवसाररूपांत येतना
नागड्या झाडांक कोंमरी येतना
आनी जीव - जंतूंच्या रूपांतलो मनीस संवसार मापतना

एक मनीस म्हाका चूक म्हणत
जनेलांतल्यान भायर पळयता
सद्याच्या हवामानावेल्यान
आनी ह्या उबाळांत तो मुखावयल्या
धा - पंदरा वर्सांचे अंदाज पत्रक सादर करता
जातूंत पावसाचो आसपाव खंयच नाशिल्लो
म्हजें कुपांनी भरिल्लें मळब ताणें निवळ केल्लें लख्ख उजवाडाचें

नागड्या - उगड्या जमनीवयल्यान
एका पोतावेल्यान दूसऱ्या पोतार
आमी पळोवक शकतले एकामेकांक
भेगांत बाग घेवन लंगीत
तरीय जगतलो मनीस किड्या - किटाणू भशेन
समर्था खातीरच्याच अधिकारांचे आरक्षण करून

दूसरो एक मनीस आवाज वाडोवन
जमनीच्या अवस्थेविशीं उलयता
नागड्या रूखाविशीं सांगतना
गाडलेले, सांडलेले संदर्भ तो उगडास करता
ताच्या कालेतीप्रमाण मोटवे जाल्ले ताचे विचार
तो मांडूक शकना सारखे
तरीय ताच्या विचारांचेर उत्तेपणान चिंतपाचें
तो आवाहन करता
दुर्बिणीच्या आरशान आता आमी सगळ्यानीच
हवामानाचो वेध घेवप गरजेचें

आमच्या भासाभाशींत
आमी केन्नाच रावलेना आमचेभितर वग्गी
म्हणोनूच आमी विचार विनिमय
चालू दवरूंक शकले हवामानाच्याच गतीन

सगळ्यांचो एकूच सूर आशिल्लो
सगळे खुशालभरीत आसचे
बऱ्या खीणांक वेधून घेवन
संवसार संतुलनांत रावचे.



निमणें सत्य

मनशान भूंयेर पेज जावचे पयलीं
मरून वच्चें
तशें, पेज जाणवसर जगचेंच कित्याक ?
सगळ्यांनी मरून वचूंकूंच जाय
निमण्या सत्याचो अणभव घेवक
घडये ज़िवीतभर पळयल्ल्या
असत्याचो साक्षीदार म्हण
तरीय 'गॅप' 'जागो रिकामो'
हीं सगळीं तोंडार गळोवपाची
फसोवपाची उतरां, गुळगुळीत

आयजमेरेन कोणाच्या फाटल्यान
संवसार सोंपला व्हय ?
खरें म्हटल्यार एकटो मेलो उपरांतूच
दूसऱ्याक तकली वयर काडपाक मेळटा

भूंयेचेर जर पेज म्हण आसा
तर तो मनशाचो फक्त
बाकी सगळें ह्या भूंयेतलेंच
भूंयेंचेर.
झाडां, जनावरां, आनी सुकण्यांचो
तर अस्त लागीं पावला
इतिहासाच्या जमेचो.

उदकांत फातर माल्लो म्हण्टगीत
तळासावन एक बोमाडो वयर येता
तो प्रवास
उदका वयर पावताच तो फुट्टा
आनी बोमाड्यांतलो श्वास मेकळो जाता
तेन्ना कोणतरी म्हण्टा
तळांगळांतलें गुपीत घेवन
तो अनंतात विलीन जाला
मनांतले दूबाव जायत्या विकृतीनी रूप घेतात
उदक मात्सो वेळ हालता
आनी मागीर सगळें परत शांत जाता
पयली भशेन
इतलेंच.



तिची काणी

पाटल्या पोंदा धांपून आशिल्लो कोंबो साद घालता
नुत्तीच न्हिदिल्ली तिका जाग येता
आनी सकाळ जावचे पयलीच तिची सकाळ जाता
ती नदर भोंवडायता गाढ न्हिदिल्ल्या
पोरांच्या मोनजात मुखांमळांवयल्यान
आनी पदराचें पोंत दोळ्यावयल्यान वोडून रान्नींत भितर सरता
ती पळयत रावता चुलींतल्या पेट्ट्या उज्याक
जळत वचपी जळणाक
लाकडांनी जळत वचपाचें आसता
गोबोर जांवपा खातीर...
लाकडां, झाडाची आंगणभर सांवळी दिल्ल्या सुरगींची
सुरगां, जी माळ्ळी माथेभर कितलोच तेप...
विकले वळेंसर पैशांच्या आशेन...
ती सांडत वयता सुरगींच्या खांदये - खांदयेर
तिच्या दोळ्यार मळब जाता

गळो भरून वोवयो गायत मोगांत मेळटल्या सुकण्यांचे
तेन्ना मन तिचें भरून येता, मळबा भशेन...
आदन खतखतून वत्ता तेन्ना ती भानार येता

ती पूसता आरशी आपल्या पदरान
आनी पळयता एक खीण आपलेच भितर
ती कपलाक लायता तिबो पिंजरीचो. मोठो,
मळबांतल्या सूर्यायेदो

ती घुंवडायता शेणाचो लोळो तुळशी मुखार
रांगोळी घालपाक
चेम्भूभर उदक तुळशीक घालता
आनी मनांतल्या मनांत हात मुखार करून
किदें तरी मागत रावता
संवसारांतल्या सुख - दूखा खातीर उजवाड मागता
काळखाच्यो कडो पुसून उडोवपाखातीर...

ती भूती घेवन घरा भायर सरता
आनी चलत वयता झपाझप पावटी बांधावयल्यान
सुकलेल्या दोळ्यांतल्या उजवाडाखातीर
उनताच्या रखरखाचो दीस माथ्यार मारून...

काळखाचो धुल्ल् पदरान फांफडीत
ती घरांत भितर सरता. सू ..च्या सूस्कारा वांगडा
घरांतलीं कामां आवयार करतकीर
ती पण्टी घेवन भायर येता
पण्टेच्या उजवाडांत उजळून वयता तिचें मुखामळ
परत परत उब्या जिवीताक दाखय - लिपय करतना
तिचे दोळे कुशावतीच्या उदकागत सुकून गेल्ले
गीमाच्या उष्णतायेन.

ती बसता दारांत दिवो घेवन
जो मिणमिणत आसता
व्हड राती मेरेन. तो येयसर
मळब आनी जमनीमदलो दूरावो मेटयत तो येता
दिव्याच्या उजवाडांत तिका सांवळी दिसता ताची
घडये काडटा आसत ती आंग, सदांच अशीं
कांय वेळ थांबलेल्या तिच्या आंगाचे धोडावप परत कोंमेस जाता
ताच्या सळसळट्या आंगाचो काळसर्प तिच्या शिरंतरांत मुंगरता
बाबळीच्या कांट्या भशेन
तरीय तिचेकडें प्रतिकार केन्नाच नाशिल्लो
पूरो जाल्यार लेगीत

पांटल्या पोंदा धांपून आशिल्लो कोंबो साद घालता
नुक्तीच न्हिदिल्ली तिका जाग येता .....



देव

हांव म्हजी विश्वरूप आस्तित्वाची वळख
सांबाळपाक खूप कमी पडलो
म्हणोनूच घडये म्हजो धाक दिसान दीस
कमी जायत गेलो
आनी आमानवी खीणांची उत्पती जायत गेली
आतां म्हजेकडें दिवपाक कांयच उरूंक ना
दूसरी प्रतीरूप सृश्ट लेगीत हांव घडोवक शकना
म्हज्या पायार तकली आपटयतल्यांची दूकां
हांव ल्हव करूंक शकना
म्हजेकडें जाप मागतल्यांची हांव फकत तोंडा पळोवक शकता
तांच्या अपेक्षांचो भंग करपाक
तांच्या घाव्यांर फूंक मारूंक शकना
वा तांच्या तोंपिल्ल्या दोळ्यांतली दूकां पुसूंक शकना
म्हज्यो सांवळ्यो लांब जायत चल्ल्यात
तशें पळोवक गेल्यार
हांव म्हज्या अस्तित्वाचें विश्वरूप
केन्नाच सिध्द करूंक शकलो ना
जाती - काती मदीं
कुडक्या - कुडक्यांनी शिंपडत गेलो
केन्ना झिजस, केन्ना हरीहर, केन्ना बुध्द
तर केन्ना पैगंबर
इतलो शिंपडूनूय हांव एक.

हांव पळयता
संस्कृत मनशांची असंस्कृत चलणूक
पोलांडांतल्या जर्मन कॉन्सेंट्रेट कॅम्पांतलें
केसांचे, बूटांचे आनी हाडांचे अवशेष आयजूय
काश्मीरांतलो आतंकवाद
आफ्रिकेंतल्या वंशभेदांतलें दूबळेपण
ट्रेड सेंटरावयलो हल्लो
गोद्रांतलें हत्याकांड
तरीय हांव बसलां ध्यानस्त
सत्यम शिवम सुंदरमचो बूको लावन
ह्या वयांत म्हजेकडें किदेंय उरपाचें
आशिर्वादांचो झेत
तोंडाचे भपके
नश्टो नेट तरी ...
रिटायर्ड जाल्ल्या सरकारी नोकराभशेन
हांव पळयत आसा
म्हज्या भुरग्यांनी केल्लो अपेक्षाभंग
आनी संस्कृतीचो अनादर
घराच्या एकवोटाच्या यत्नांत
खंय तरी वांचोवन उरिल्ल्या ओल्या आशेर
पेन्शनाभशेन
म्हजें आसप दूबावांत कालोवन ....

घडये हांव जगता जाल्यार तुमच्याच काकूटेचेर



सपनां

सपनांचेंय आसता आपलेंशें एक विश्व
जाका उरना दीसाचें वा रातीचेंय भान
म्हणोनूच ते सपनांचो आधार घेवन
जगपांतले खीण वेंचतात
कास्तिकांचे जिणेंत तर सपनांशिवाय
आनीक खंयचोच नासता उजवाड
कशें जगतात आसतले ते
जे सपनां पळयचनात ?
म्हणोन दिसता जगपच न्हय सपनां शिवाय
सपनां विशाल मळबा सारकीं
गडद निळे उंचायेर तेमीचे
जांका केन्नाच उल्लिना शीम - मेंर जिणेंतल्या उपभोगाची

सपनां दिकांतर करतात वेळाकाळाचें भान दवरून
म्हणोनूच मनांत आसता तें सपनांत दिसता
तेन्ना ताका वेगळेचाराची सुलूस लागता
भुरगेपणांत भुरग्यांच्या मनां सारखी
अपुरबायेची सपनां, घडये विचित्रूच
अपसरांभशेन पांखटीं फुलोवन
मळब निळें वेंगेंत सामावपी
मळबाक हुमकळपी वाऱ्यांत धोलपी
उदकार चलपी चॉकलेटींच्या झाडांचीं
सळसळट्या रगताचीं सपनां
तांक आनी श्रृंगारान भरिल्लीं
दंवान भरिल्ल्या पांचव्याचार शेतांतल्या
नव्या उमेदींच्या नव्या दीसां भशेन

सपनां वाऱ्या भशेन अनवळखी
मळबाभशेन अनंत
दर्याभशेन दिगंत
उज्याभशेन रखरखीत
आनी जमनीभशेन असीम

म्हणोन सपनां पळोवचीं आनी आपल्यांतूच रिगोवचीं
घडये जैतिवंत करूंक हावेसूय बाळगुचो
तेन्ना दुसऱ्याची खोस भंगची न्हय हाची जतनाय घेवची

उदाहरणार्थ, पाकिस्तानान पळयल्लीं काश्मीराचीं सपनां पळोवन
हिन्दुस्तानाच्या मनाक वेर गेल्या म्हणपाचें जाणवता
आनी एक जन समुदाय आक्रमक जायत वयता
तेन्ना सपनांय जातात आतंकवादी
म्हणोनूच सपनांचें क्षितिज लेगीत रकशेल्लें दिसता

जाण्टेपणांतलीं सपनां आनी त्या सपनांतलीं सपनां
सुस्त बसोन पळोवपी देवाच्या नांवार
जपमाळेंतले मणी मेजीत
संवसार आनी संवसारांतल्या सजिवां खातीरच्या आशिर्वादाच्या
तटास अणभवांतल्यांन मापलेलीं

तरीय ते सूर लायतात 'विकून उडयात तीं तुमचीं सपनां'
चिंततां
हांव कितें घेतलों सपनां विकूनं उडोवन ?
सपनांच्याच पांयांचेर आयज मेरेन हांव उबो आसां
जिणेंतलें एक - एक सपन
जपमाळे भशेन गुथीत.



फारीकपण

स्वार्थान विकार तयार जातात
आनी विकार ल्हवू ल्हवू
वंशाचो लेगीत नाश करता
दोंगरांनी आनी न्हंयांनी
आमकां हेंच सांगलां
स्वार्थ हेंच दूख
तरीय आमी दुस्वासान विभाडटात
आपटतात, धोपटतात
आनी म्हायुध्दां मेरेनच्या नाशांत
सामील जातात
घडये फाटल्यान नांव लेगीत ना उरपाक

ज्या म्हाकाव्यांनी आमच्या संस्कृतीची
बुनयाद बसयली
त्या म्हाकाव्यांनीय आमकां हेंच शिकयलें
जंय सांवन स्वार्थ रूजूक लागलो
थंय सांवन रघुवंश, यदूवंश, कुरूवंश लेगीत कोसळ्ळा
नाश पावला
होच नाशाचो इतिहास
होच स्वार्थाचो इतिहास
येदो व्हडलो इतिहास गांठीक आसतना

काळीज भेदपी काळ्या रातीचो
सोसूंक जायनाशिल्लो दूखांचो भार घेवन
हांव खूंपदा रडलां
म्हज्यांतूच दूकां गळोवन

म्हज्या म्हाका विसरून
हांवें सुखाचो मार्ग सोदून काडलो
सैमाक समजोपी
घडये होच प्राचिन वेदान्त
जाच्या आधारान हांवें कितलीशीच शास्त्रां बरयली
त्या शास्त्रांक उजागर करतना
वंशकूळांय नांवा रूपाक आयिल्ली हांवें पळयल्यात
म्हणोन हाच्याक व्हडलें
हाचे मोल आसूंक शकना
तरीय रूजना शाणेपण म्हज्यांत
म्हज्या आवड्यांच्या पुर्तीखातीर
स्वार्थाबगर हांव दूसरें कांय चिंतूकूच शकना

दोंगोर, न्हंयो, जमीन, मळब
म्हणोनूच घडये आतां वग्गी आसतात
आनी स्वार्थाचे फारीकपण म्हण मोन्यांनी
अदीं मदीं कोसळत रावतात
म्हापूराच्या रूपान व्हावत आसतात
भूंयकांपान फूटत आसतात
आनी निळें मळब तांबडे जायत आसता.



ब्लॅक

काळखाच्या निराकारांत सांडटात
नगरां, महानगरां, रस्ते, घरां
तेन्ना आवाजहीन किंळाच्यो उट्टात
अदीं - मदीं गर्भाशयात
आनी जातातूय शांत ल्हवू ल्हवू
काळजाच्या ठेक्यावयल्या आदितालांत
जशी गुपाट रानाची गर्भार शांतताय
गिळून उडयता पयसूल्यान येवपी
एखाद्र्या घुमसत वचपी
इगरजीच्यो घांटी
रानूच जाता गर्भालय
गच्च भरून अंतरंगांत आदिकाळोख
आनी काळजाचो आदिताल

गर्भाशयांतल्या मोनजात काळखाक आसता
निरामय सावूद रतिबंधांतल्या आदिसंबंधाची

आतंकमुक्त अवकाशाक नासता गिऱ्यांचो प्रभाव
वारी शिवाय
आसता फक्त तेंक
चंद्राच्या कलेन वाडत वचपी गर्भाचो
थंयच्या आदिकाळखान रचिल्ली प्रकृती
भेदूक शक्य जायना कोणाकूच
डार्विन मांडटा शास्त्रां ' थिसीज ऑफ ओरिजीन 'च्या आधारान
कुवतीच्या चौकटीभितर रावोन
गर्भ दाखोवन दियत रावता आपली जाणीव
आनी वाडत वयता सिध्द करीत आपलें अस्तित्व
ताच्या सोबीत सुंदर साम्राज्यांत
परास्त जाल्ली आसतात
सत्ता आनी धर्माची विंगड विंगड रूपां
आदि संस्काराच्या आदि काळखांत

गर्भाक वांगड आसता भंयमुक्त काळखाचो
संवसारांत रावोनूय संवसाराच्या अलिप्ततायेचो
त्या निर्विकार गर्भांत घुमत आशिल्ल्या ओंकाराचो
म्हणोनूच घडये सवयेनूच फुलत आसता
वेदनांचे आशिल्लेपण भितरले भितर
तेन्ना भितरल्या मौनाचो प्रकाशोत्सव चलता
जसो स्तोत्रल्हारांनी दर एक खीणांच्या फांतोडेर
गर्भाच्या अंतरिक्षांत घुमत आसता अमीबाच्या आदिस्मृतींत

आदि काळखाच्या प्राकृतींत सगळें घडत आसतनाच
सिध्द जाता सृजनांतलें अगम्य अद्वैत
दोळ्यांतल्या आदिअंताक स्पर्श करपी कारूण्य घेवन
चार वेद, स शास्त्रां, अठरा पुराणां
चवदा विद्या, चौसष्ट कलेंतल्या आदिबंधातल्या
संस्कारांच्या सर्वांग न्हाणेंतल्यान

आनी भिरांकूळ जगाक दोशी करपी शीमेवयली
मोडून पडटात काळोख आडोवपी दूरगां
अनवळखी सांवळ्यांच्या आकार - अनाकारांत
अवकाश आनी इतिहासाच्या संदर्भांचें
नातें समजोवचें पयलीच
काळोख कूस बदलता
भितरल्यान भायर चोंयवर्शी
आनी काळखा वांगडच्या आदिद्वंद्वांतल्यान
उबी जीण कास्तीकाक घेवन चलत रावता
उस्कारांच्या अनादिबंध संस्कारांत
संस्कारांक आसतात बाबळीचे कांटे
जे येन्ना - तेन्ना तोपत रावतात

काळजांतल्या मुंगरून बशिल्ल्या घड्याळाक
तेन्ना काळखाचे फातर एकठांय जातात
मनांतल्या पाताळांत

अग्नी आपली साक्ष दिता फातरांच्या घर्शणान
आनी चिरेबंद फातर काळखाच्या निराकारांत सांडत रावतात
नगरां, महानगरां, रस्ते, घरां
गायत सार्वभौम काळखाची अभंग करूणाश्टका ...



म्हजे कविते तुवें....

म्हजे कविते तुवें जागयत रावची
सनातन काळखाची युगां
तुवें नोंद करचे काळाचे अश्व
तुवें म्हज्यातच रावचें
म्हज्या रगतांतल्यान फुलपी एका - एका विचारांत
हिरकणीभशेन तुजो जीव घुटमळचो
आनी वेदनेच्या फुगसांवाचे दोंगर चिड्डोवन वयचे
अफगाणिस्तानच्या महाकाय मुर्तींत
हळहळपी गौतम बुध्दाभशेन
धर्मांध राजवटीच्या विखारांतल्यान

म्हजे कवि़ते तू नोंद करून घे
दारिद्र्याच्या अठरा विश्वापोंदा चेंपिल्ले म्हजे पूर्वज
आनी तांच्या वेदनेआड
शनिमहात्म्य वांचीत बशिल्ली
दिवो पालोवन ह्या कुशीवेल्यान त्या कुशीर तळमळपी

दर एक पुर्वजांची घरकान्न
मरण येना म्हण मरण कळो सोंसपी
जिका दुःखाच्या एकसूरपणाचो खूरीस
दवरपाचो आशिल्लो सकल खीणभर
कल्पनेंत मुंगरल्ल्या देवाफुड्यां
आनी मागपाचे आशिल्लें भोगसूणें
घडये चुकून सुध्दा घडोव नाशिल्ल्या
सगळ्याच गुन्यांवांखातीर

म्हजे कविते तुवें नोंद करून घेवची
त्या काळखांतली हळहळ
आनी त्या वेदनेची गती
जी सूर्याच्या किरणांच्याकूय फास्ट आशिल्ली
आनी जाचें स्वरूप कितल्याशाच
अश्वत्थाम्यांचें आशिल्लें

म्हजे कविते तुवें नोंद करची
कनकोणमच्या ९० भुरग्यांच्या ताळ्यांत
विरघळून गेल्ली मोनजात किंळाच
तुवें हेंवूय नोंद करचें
फास्ट लयाक वचपी आधुनिक संस्कृतीत
आपल्या दिकाशून्य जगण्याक पर्याय सोदपाच्या
प्रक्रियेतलो सामको कठीण काळ
जाका धांग मारूक शकलीना
मॅरीलिन मन्रो आनी गुरूदत्त
काळोख पिता पिता काळखाच्या सुवादीन जावपाचें खीण

कविते तू नोंद कर
मळबाच्या चौकटीर आपलें नांव बरयता बरयता
आपल्याच हातांनी ते पुसपी अर्नेस्ट हेमिंग्वे

जाचे पिस्तोलाचे हात आपल्याच तकलेकडें वयतना
मात लेगीत थरथरलेना
त्या खीणांक तू नोंद कर
म्हजे कविते बांध तू अणभव तुज्या गांठीक
मायकल एँजेलोन इगरजीच्या गाभाऱ्याच्या पाडसाक
चितरायल्ल्या बायबलाचे
आनी पिकासोच्या फुडाराच्या चित्राचे
अमर्त्य तुतेनखामेनच्या पिरामिडांत जिरिल्ल्या जिणेचे
सगळें दवर तू तुज्या काळजाच्या कुडींत
वेदनेचो संदर्भ म्हण

कविते तुवें रावची म्हज्याच वांगडा
म्हज्या विचारांक प्राकृतीच्या कृतीची जोड दिवक
तेन्ना तूच समजूंक शकतली
बेआवाज शब्दांभितर देंवून वेदनेचो आर्तनाद.



काल

उगडास उरपा सारकें
काल आमच्या गावांत कांयच जावंक ना
कायतील्या दूकनाकडल्यान चितीत येयत जाल्यार
मुखार मेळटा इत्रुजा माटोव
मागीर मेळटा कोपेल, तारयावाडो
मागीर वयलोवाडो, गळावाडो
आनी मागीर पावता मानशेर
केलमेतीनाल्या दूक्नाकडें
एक - एक वाडो, एक - एक मनीस
दोळे मुखार हाडल्यार लेगीत
कालचें जिवीत तेंच आशिल्लें

जें पैर जाल्लें
म्हणोनूच घडये कालच्या दीसाची
कोणाक उमळशीक लागों नाशिल्ली
कोण तिश्टोलोय ना

कोंब्यान साद घातलो
आनी आयदणां आपटोपाक कोंमेस जाली
मागीर कावळे आनी पोदेर
वांगडाच आयलें
देमू दूद घेवन आयलो
तेंच दूद
उदकांत मेळयल्लें
कालचोच सुर्य कूपांतल्यान
भायर येता तो दिसलो सावरीवयल्यान
जाण्टे येवन बसले चिंचेपोंदा उनत खावपाक
भुरग्यांनी केलें कोंमेस गड्ड्यांनी खेळपाक
पोको आनी तिमा जाळी घेवन नुस्त्याक गेले
कामतीलें चली माळयेवयल्या व्हरांड्यांत
खूप वोगोत मेरेन आरशेंत पळयत
पिकिल्ले केंस तोडटालें

साजूली मोसरां सगळ्या रस्त्याक शेण करीत
मंडूरा गेली
रेमनाथ तिट्यार गेलो चाकाट्यांक
रस्त्यावयल्या शेणांत पडटो पाय चुकयत
धा - अकरा म्हटल्यार
त्योच कालच्यो यान्नी नुस्तें घेवन आयल्यो
कुत्र्यांचो भोंकपाचो आवाज नवो नाशिल्लो
म्हणटसर भोलूबाय आनी काशीची झगडीं
कोमेस जाली : आतऱ्या - पयऱ्याचीं

काल आमच्या गांवांत कांयच जावक ना
मनांत दिसतालें तेंच चलतालें
दाखय - लिपय नाशिल्लें
सगळे मनीस
मनीसपणांतूच आशिल्ले
काल मेरेन हांव खोशेन सांगतालों
परशूमान एकवीस फावट
विनाशाचें रूप धारण करपी पृथ्वी
नि:शस्त्र केल्या म्हण
रामान शबरीली उश्टयल्लीं बोरां खाल्यांत म्हण
कृष्ण द्रौपदीची लज धापूंक धांवत आयला म्हण

काल मेरेन आमकां विष्णूची आशा आशिल्ली
काल इतिहासांत जमा जाला

काल आमच्या गांवांत कांयच जावंकना
म्हणोनूच घडये कालच्या दीसाची
कोणाक उमळशीक लागों नाशिल्ली
कालचे खातीर कोण तिश्टोलोयना.



रात

एक रात दूसरे रातीभशेन नासना
तशी ती परतूय केन्नाच येना
मनांत आसल्यार लेगीत
रात खूप गरजेची
दीसभराच्या धावपळींतल्यान घरा परतोवपाची
ल्हान व्हडांत एकरूप जांवपाची
घराचो स्पर्श जावपाची
रात घर न्हय
म्हणोनूच कोणें अशें समजोवचें न्हय
दर एक काळोख हीच रात

रात गरजेची भुरग्यां - बाळांक
झाडां - पेडांक, फुलां - फळांक
देखूनूच जांवये न्हीद आनी सपनांची
एक तार छेडीत आसता रात.
रात, रातराणी.

रातीच्या पाख्याक नखेत्रांचो नाज आसता
चंद्रीमाचो साज आसता
काळखाची गाज आसता
आनी एका मेकळ्यापणांतल्या मोनेपणांतूय
उर्बेचो माज आसता
थंय आपशीच वोंठ हालतात.
रात आयलेबगर डिस्कोची थाप बसना

कमर हालना
आनी पार्त्यांक तर मजाच उरना
म्हणोनूच घडये थोडे रातभर घरा परतचनात
चलत रावतात
आनी घरांत न्हय रातींत रावतात
देहाधीन ....

गेल्या काळाचें आनी येतल्या वेळाचें
भान दवरता रात
नाजाल्यार एकाच दिसाचो आसतलो आशिल्लो
हो संवसार.
काळखाच्या गर्भकूडींत महाभारताच्या महानायकाचो
जल्म जाता, रातीचें निमित्त सादून

रातीच्या गर्भाशयांत न्हिदिल्लो दीस
नवी उमेद नवे विचार घेवन येता
म्हणोनूच एका रातीन सत्ता परतता
लाक्षागृह पेट्टा.

कितलो शांत आसता दर्या रातीचो
दोंगर - दोंगुल्ल्यांची तेम
आनी तितलोच शांत आसता
संवसाराच्या राटावळीं वयलो विसर
रातीक जाग काळखाची
म्हणोनूच तर उकटो संभोग चलता
रातीच्या कूलच्यांवार.

दीसा सारखी वळख नासना रातीक
रात येता म्हणोनूच दीसाक आपलें तोंड
दाखोवचें पडटा
वाटो सांडटात रातीच्या भूंयारांत

म्हणोनूच अश्वत्थामो पांडव म्हण
द्रौपदीच्यां पुतांची हत्या करता
तेन्ना आवयच्या हुयेल्यांनी लेगीत रातीचें काळीज
चरर्र जायना
भिजूड मनांक रात भिवयता
आनी आदनेरींक ऊत येता
म्हणोनूच देव - देवचारांच्या म्हापूरांत
आमी व्होळून वयतात.

जे घरा परततात तांका सगळ्यांक
जेवण नशीब जाताच अशें नासना
तेन्ना ते रातीच्या काळखांतलो
थोडो काळोख खावन
दोळे लागपाची वाट तेळीत आसतात
दूसऱ्या दीसाच्या प्रतिक्षेंत

निस्तल्ल्या सूर्याक सुशेग जायच पडटा
घडये रातीच्या कूसव्यांत लंवडपाक
रात आसरो दिता घर न्हय

सुस्त न्हिदिल्ल्या मनशाच्या सनातन रानांतल्यान
रात धांवत आसता
रेल्वेभशेन एकटीच.

एक रात दूसऱ्या रातीच्या बदलाक केन्नाच येना
मनांत आसल्यार लेगीत
तरीय दीसांतल्यान परतल्ले न्हिदतात
रातीक घट्ट वेंग मारून.



झाडां

तांचे वयलो दुश्काळ
ताणी पळयलो नदरे पैस
आनी झाडां लावपाक कोमेंस केली
घडये वनमहोत्सवाचे फॅड म्हण

झाडांनी रान तयार जाता
वाऱ्याची गची अंदता
तेन्ना सूर्याची नदर मोटवी जाता
थंय असत्याक पांखां फूट्टात

झांडा वाडत वयतात मोनजातीभशेन
उदकाक निमित्त म्हण
पूण जेन्ना मातयेवयलो पाळांचो विसवास
पोगळपाक लागता
तेन्ना झांडांकडें पानगळ सोंसपाक शक्य जायना
आनी सूकण्यांच्या चोंचीतल्यान
मातयेचें गीत फूटना

झाडां विरोध करीनात
मोन्यांनी मातयेंत आपली पाळां
मुंगरयत वयतात
घडये गडगंज उबे रावपाक
आपल्या संस्कृतीच्यो वाटो सांडयत
कसल्याय वाऱ्यांत
खंयच्याय रुतूंत, बंड करी नासतना
जुल्माचें आघात सोंसपाक म्हण झाडांकूच
आपलें दैवत मानपाक
ते केन्नाच फांटी रावलेना

झाडांक जाय तशें तोडपाक मेळटा
जाय तशें मोडपाक मेळटा
नाजाल्यार मुळांसकट उमटावनूय उडोवपाक मेळटा
'झाडांचे दूक व्हडले नासता '
हें फक्त तांका दिसता.

उनताचो रखरख सोसूं नज जाता तेन्ना
झाड वोणोव घालता
तेन्ना तें पळयता आपल्यांतूच
खांदये - खांदयेंतल्यान
आपल्या उणें जावपी सांवळेंचे प्रमाण
आनी सूकोन वयता अन्यायाचे प्रतीक म्हण.

झाडांनी एकवोट सादचो न्हय
एकवोटांत झाडां एकमेकांकडेन पैज मारतात
मळबाक हात तेंकोवपाक
एका मनाची दूकां दूसऱ्या मनांक दिकांतर करतात
तेन्ना दूकांचें सावट
उब्या वाठारार चरत्याभशेन चरत रावता
तेन्ना दूसवास जून जाता.

काळखें रातीं झाडां हालतात
आनी भूतांचो खेळ कोमेस जाता
ती झाडांच्या वनवासाची खरी सुरवात

अन्यायाचें सत्र सोंसपाक जमना
तेन्ना झाड आपल्या न्हयकारांत पानां गळयत रावता
आख्खें मळब झाडांतल्यान सकल देंवता
आपलें नितळ - निळें पडबिंब पळोवपाक.



थोडोसो इतिहास

इतिहासान केल्या खूपदां
राजनितीक परास्त
तरीय राजनितीच्या जैत - हारींतल्यानूच
इतिहासाची वाट वचत आसता
म्हण आमकां जाय थोडोसो इतिहास
फाटलो आधार घेवन मुखार सरपाक
वांकडी पांवलां नीट करपाक
घडये आपूण इतिहास जावपाक
म्हण आमकां जाय थोडोसो इतिहास
पोटभरीची अपेक्षा ना
वास घेवपा पुरतो लेगींत मेळ्यार जाता
तोवूयबीन खऱ्या - खोट्या इतिहासाचो
कस लायल्या उपरांतूच
नाजाल्यार शिवाजीच्या वा टिपू सुलतानाच्या
तलवारीचे भांडवल जाता.

इतिहास उस्तुवचो पडटा
घडये आपल्याक जाय तसो अर्थ लावपाक
तरीय आमच्या अदमासाक
आमी आळाबंद घालूंक शकंनात
आपलो अदमास खरो आशिल्ल्याचो
आमी दावोय करतात
प्रमाणभूत म्हायती नासतना लेगीत
नव्यान इतिहासांत बसपाक

इतिहासाच्या हस्तांतरान वाडत वयता पालो
जमनीचो उगडो जागो लिपयत
आळवाच्या पानांभशेन
मानवतेच्या मनांची उंचाय कमी करीत
तेन्ना तुकारामाची हत्या लिपयत
विमानांतल्यान वैकूंठ प्रवास सर्वमान्य जाता
आनी एका क्रांतीकाऱ्याक देवपण मेळटा

इतिहास खरो वा खोटो आसूं येता
तो सगळो आमी घेवपाचो आसता
इतिहासांतल्यो चूको घेवन
विचार करपाचो आसता
पानीपतची हार आमच्या कपलाक
काळें कित्याक फांसून गेली
स्वातंत्र्याक उशीर कित्याक जालो ?

इतिहास उजवाडायला लिखाणान
प्रमाणभूत केला वास्तूंनी
आमची जापासालदारकी
ह्या रूपड्यांच्या काळांत
कशेंय करून जिवीत वांचोवपाची जाल्या
म्हणोन म्हणटा,

जगपाक थोडोसो इतिहास जाय
थोडेशा सपनांक
थोडेशा खऱ्याची झालर जाय
थोडेशा दुबावांक
थोडीशी पुर्ती जाय

इतिहास गेररांचो, जीवहानीचो
इतिहास सभ्यतेचो, रेसपेदाचो
घडये अदमासांचो
जानकी, रामायणाचो इतिहास

द्रौपदी, महाभारताचो इतिहास
बायलेची फांट तिचोच इतिहास
जगपाक थोडोसो आधार जाय
थोडोसो सुशेग जाय
म्हण जगपाक थोडोसो इतिहास जाय.



बाबूच्या मरणाचे अंतरंग

(ode to my beloved father)

मरणाच्या सुवादीन जाल्ल्या बाबू
अख्खें कुरूक्षेत्र बुडून गेलां अकस्मात
आयिल्ल्या काळखाच्या म्हालोटांनी
आनी पार्थ, तू देंवून आयलो तुज्याच पायांनी
धगधगत्या सरणावेल्यान
तशी अपेक्षा हांवेय आपणायल्ली बाबू
पूण वास्तव आनी दंतकथा
हांका हांवें केन्नाच एकठांय हाडपाचे
जैतिवंत यत्न केलेना
जाल्यार आताच हें वोक्ल म्हज्या दोळ्यार
चडलें कित्याक
बाबू, तुज्या अंतयात्रेंत चलतना ?
जाव येता, तुवें केल्ल्या असिम मोगाचे भावनावश तरंग
म्हज्याय मातयेच्या मनार आपटले
म्हजें मन बाळगितना खूपदां संवसारांतली वादळां

तुवें तुज्या म्हाकाळजांत दडोवन दवरली.

तू वयता अनंताकडें बाबू निमण्या रातीच्या
निमण्या रातधुनींतल्यान
तुवें उबें केल्ले तुज्या सुशेग नाशिल्ल्या कश्टांचे म्हानगर
दवरून.
चिरंतन सुशेगाच्या सत्याचें नांव मरण.
घडये रुढी आनी परंपरेचो जापसालदार म्हण
म्हज्या जापेच्या पलतडीं आसूनूय
हांव भोगता सोबित सुंदर मरणाचो अणभव
सत्याच्या परिपाकांत
मरण आशिल्लें म्हणोनूच तुज्या जल्माचें पोत
संवसारान हातांत धरलें
संवसार म्हणजे नण्णेच्या काळखी चोब्यांनी
मातिल्लें खाजन
कितल्योशोच पिळग्यो हातूंतल्यान गेल्यात
म्हजोय वांटो दवरून
म्हण मरण तुजें आसू वा आनी कोणाचेंय
तें आसता ह्या संवसाराच्या रहस्यासारखें
जाची पोतां कोणाकूच मेळप शक्य जालींना
काळखाचेंच तें आनीक एक रूप
त्या काळखांतल्यानूच धांवत आसतात
काळाचे अश्व एका युगाकडल्यान दुसऱ्या युगाकडे
कोळोख दोळ्यांतलो
उजवाडाच्या कुशींतलो
काळोख आईच्या गर्भांतलो
रंध्र - रंध्र तयार जाता काळखाचें
आनी काळखाच्या इंद्रीयांचे हाडांमांसांनी आकार घेता
त्या काळखान तुका आपणायलो
अनंत मळबाचें वोझें माथ्यार घेवन, तू गेलो, बाबू
भरिल्ल्या कश्टांनी जगपाची उमेद वगडायल्ल्या

यातनांची संपती घेवन फक्त आपल्याच वांगडा
तरीय हांवें विचारलेना तुका
'तू म्हजे खातीर कितें दवरून वयता फाटल्यान
वा म्हज्या 'जल्माचो उध्देश '
काळखाक आड दवरून विसरूंक शकचोना हांव
तुजे कश्ट आनी खास्ती किंकोत करून
भुकेन नवोच रंग दिल्लो तुज्या जगपाक
तुजें समर्पिताचे ध्येय.
आनी श्रमार उबें आशिल्लें तुजें विश्व
शेषाच्या तकलेवयल्या पृथ्वी सारखें

खरेंच मरतलो मरता एकटोच
कोणूच वचना, मरना ताच्या वांगडा, हें कित्याक ?
तुकाय विचारूंक शकलोना बाबू
तुजो बापूय अंतरलो तेन्ना
तशें पळोवक गेल्यार
भुके शिवाय तुजेकडें आनी कसलेच प्रश्न नाशिल्ले
जाच्यो जापो सोदपांत तुवें वेळ घालयला
फक्त तुवें तुजी ओढ सांगली
खाजनांतल्या शेताची
म्हणोनूच हांव पळोवक शकलो
तुज्या नदरेंतल्यान शेताकडें
तुका जमीन कसतना,
भरिल्ल्या पिकांतल्यान नवें हाडून पुंजतना
लिवणी करतना
तुज्या कश्टांची याद करतना शेताची माती तुका
आपल्या मुळांकडे व्होडून हाडटाली
आवय पुताच्या चिरंतन नात्याची साक्ष म्हण
हांव मानता तुज्या कश्टांक
मरं सर तुजे कश्ट पोटाखातीर करूनूय

दोन घास सुशेगाचे तुका मेळ्ळे ना
काळखाच्या पोटांत दडिल्ल्या अठरा विश्वांच्या
दारिद्र्यांतल्यान तुजें चलप चालूच आशिल्लें
रूढी परंपरा आनी अज्ञानांच्या पायणींतल्यान

बाबू, तूं आतां सुस्त न्हिदला तुज्या मड्यार
आनी कांय खीणांनी हो तुजो देह करतले
उज्याच्या भकीक
तरीय हांव निराधार पळयतलों
म्हजें काळीज नीबर करून
गळ्यांतलो आकांत चिड्डून
आनी पिंजिल्ल्या मनाची बोतरां यादींच्या उटयेंत
घालून परततलों गर्देतल्यान
तेन्ना बाबू, 'म्हज्या कश्टांक जीव मेळों'
म्हण तुका म्हज्यांत आशिर्वाद भरचोच पडटलो
कित्याक जाणां मरणान सगळ्यो गजाली सोंपनात
एक नवें पिक काडपाखातीर शेत तयार जाता
आनी नव्या मळबाक नवें माथें बसता.



माय डार्लिंग, माय लव्ह

डार्लिंग, काळ चलयता घड्याळ आनी तू पवडलां
एकचित त्या टिकटिकेंत
तुज्या काळजाच्या एका - एका ठोक्याकडें
बसल्यात कितलेशेच काजळोन गेल्ले सूर्य
आनी तांच्यो सांवळ्यो स्पश्ट दिसतात म्हाका
चार वण्टीच्या मुखामळार

डार्लिंग, उजवाडाच्या भूंयारांत चोम्यांनी लिखलिखपी नखेत्रां
जशें उबें ब्रम्हांडूच तुज्यांत मग्न आसा
वोतोन घेवन मस्तकांत वैदीक आचार, पंचतंत्र आनी अरेबियन नाईट्स
एक - एक नखेत्र - युग हुंपूनूय पावना हांव तुजे मेरेन
एका एका पावलाचेर एका - एका सभ्यतेचे एक - एक युग सोंपोनूय.
सप्तपदी खूप फांटी मेळिल्ली
काळाच्या नखऱ्यांच्यो तऱ्हा मोजतना मोजचें न्हय कोणें विश्वाचें आयुष्य
कागद पिंजून उडोवचो तसो पिंजून उडयलो तुवें काळोख

आनी त्या ब्रम्हांडांतलीं सगळीं नखेत्रांच
घेतली तुवें ओडून आंगार पांघरूण करून
तरीय दिसतात म्हाका तुजे दोळे साळीचे
रातीतल्या काळखांत चकचकपी
जे पाखटी फडफडावन उडोक पळयतात
स्वार नाशिल्ल्या धांवत्या घोड्याभशेन धांयदिकां
हांव पळयता तुज्या दोळ्यांतलें आव्हान
स्वीकार करी नासतना
मोनेळाच्या खांदयेक वटवाघळा भशेन परतो हुंबकळोन
म्हज्या भविष्याचेर राऊंड दी क्लॉक
पारो दिवनूय चान्स मेळटाच
सगळें विश्व घुंवडावन उडोवपाक
गडद निळ्या मळबाच्या गिऱ्यांक स्पर्श करून येवपी हें वारें
काळजाच्या गर्भकुडींत वाजयत रावता मंद-मंद प्रायजणां
डार्लिंग, अशीच वाजयत राव
तू तुज्या कमळाच्या पांखळी वोंठावयली बांसरी
म्हज्या विश्व - उजवाडांत
कांय खीण म्हज्या वांगडा घेवन
जागयत दवरता म्हजें मन
हांव उलो करीत रावता
हांव आयकता गायत्री मंत्रघोष
हडकीत रावता मनांतल्या मनां-मनांक
आनी ह्याच मिलेराच्या फोर्सार आशेच्या मिशांक पिळ चडयत रावता

डार्लिंग, म्हजो आवाज पावता न्हय
तुज्या अंतस्करणामेरेन ?
कित्याक जाणां म्हाका दिसना तुजें अंतस्करण
तशी हांगसर सदांच रातूच आसता
काळखांत वळख नासना
जितली काळखी रात तितली तांक

काळोख मुखार उबो रावता
म्हणोनूच तर हांव घटमूठ आसा किष्किंधराज वालीभशेन
म्हाका अणभवूंक मेळटा म्हजी फेवणी
जी मळबाक आपटून लेगीत परतता
आनी गाजोवन वयता ह्या रातीक.
कांय वेळा पयली
कामगारांच्या विराट सभेचें
ह्या पेढीर आयोजन जाल्लें
त्या निर्जन पेढीचे गाढ न्हिदेंत परवपी मौन
आनी फुडाऱ्यांच्या पुतळ्यांक वेटाळें घेवपी निःसंगता
चौथऱ्या वयल्या निऑन लाईटीचो आपले पुरतीच
चलिल्लो संवाद
बारबालांचो चुमो घेवन प्रतिक्षेंत उबें आशिल्लो
गोंयच्या अफवे सारखो शिंपडपी वारो
संवसारांतले पळोवचे जागे ह्या वळेरीत
आठवो जागो घेवन बशिल्ले गोंय
जायरतीच्या पोस्टराभशेन दसयल्लें
कुड्डेपणाचो झेत मिंरोवपी जनेलांतलें मळब

डार्लिंग, ह्या सगळ्यांत खंय आसा तू ?
तुका आयकोंक येता म्हजो आवाज ?
हत्तीच्या नोटींत गांधी आपल्या तिनूय घाळ माकडांक
सत्य धांपून निःशब्दतेंत सोडिल्ल्याभशेन
आदम इव्हाच्या आदिम स्पर्शाच्या
अभेद्य उंचायेच्या उगडासा भशेन
लादन आनी लाल्हे, सबाह आनी फराह
हांच्या जोड दूकांच्या विखारान कोरांथिल्लो
टोरीनाची राजकुमारी मारिया व्हिक्टोरीयाच्या दुर्दैवा भशेन
आनी तुज्या शिरंतरांत सर्पाभशेन शिरशिरून देवपी
निःशब्द म्हज्या पुरुषार्थाभशेन

डार्लिंग, देवळामुखावयल्या तळ्यांत
वाघ उदक पियेत पळयता मळब एका दोळ्यान
तरीय हालना तुजें प्रतिबिंब
वाघ मातला येणेर कसो सुकलेल्या काळजाचो
ताच्या तांबड्या भडग दोळ्यांत
तू इतलें भिल्ल्याभशेन कित्याक ?
उदक सुकत वयता ताच्या काळजांत
निकरोप पसवता ताच्या नदरेंत
ताच्या कुड्ड्या हुयेल्यांनी
म्हणोन सांगलेलें तुका तुज्या नदरेचें क्षितिज
अदीं मदीं तपाशीत राव
त्या सरहदीच्या पलतडीं एक पाकिस्तान आसा
यो तू धांवत, हांव पळय हांगसर आसा
संवसाराच्या गर्देंत काळखाच्या तुवाल्यान
म्हजें मुखामळ पुसपाचे यत्न करता
वाघ तुकाच उकलून व्हरत जाल्यार तू किदें करतलें ?
समाज, संस्कृती, आदर्शांच्या ह्या झुडपांनी
बायल जाल्ल्याचे दू:ख विसरून समर्पितांच्या यादींत बसतलें
फक्त 'सौभाग्यवती भव' च्या आशिर्वादाखातीर
इतलेंच न्हय?
स्वप्न आनी सत्य हांचेमदीं कवितेभशेन उबें रावपाक जमचेंना तुजेंकडें

डार्लिंग, आयकता न्हय म्हजो आवाज
घडये तू आयकूंक शकचे ना म्हजो आवाज
किद्याक जाणां, म्हजो आवाज पावपा मेरेनच्या पलतडीं
आसत तू घडये
घडये नासतूय
हांव ह्या सनातन आदिम काळखाच्या गर्भ कुडींतल्यान
म्हज्या दूखांक तेंकून रावन तुका आवाज दिता
कोण जाणां मुखार तुजो सर्ग आसा काय म्हण ?
आसत जाल्यार निश्चितूच तो

तुजे सारखो सोबित सुंदर खोशेच्या फुलांचो
तुज्या वैभवशाली म्हानगरांचो
तुज्या अनवळखी नव्या जगाचो
जाची जिवीत मुळां नितळ निळ्या उदकांत बुडलेली आसतली
आनी तुज्या अनिकेत शिरंतरांतल्यान दरवळून उठपी
तुज्या यौवनाच्या गंधाचोच आसतलो
जंय दीस दीमयो मोडून भूंयेवयल्या तणार लोळण घेता
आनी मळब पीत दादोसकायेचो देंकर दिता

तू म्हाका स्पश्ट दिसता डार्लिंग सांभाळून तुजीं सपनां
तुजे ते वाऱ्यार उडपी उदेंतेच्या किरणांचे केंस

निळ्या - निळ्या मोनजात दोळ्यांत
तुज्या म्हज्या कापोडयांनी विणिल्ल्या म्हाकाय
जाळाभशेनचे ऋणानुबंध
आनी गुलाबाच्या पाकळ्याभशेन उगडपी वोंठांतल्यान
म्हजे उबें विश्व आड घालपी तुजें अलक निरंजन हास्य

डार्लिंग, तुवूय येवन बस न्हय म्हज्या ह्या दोळ्यांत
आनी पळय तुकाय घडये भोगूंक मेळटलें
ह्या अलौकिक खीणांच्या जिणेची वेळ
म्हणोनूच तर पळयत रावन दिसता
चंद्राच्या मुखामळावयले दाग
धांयदिकां उडोन शिरंतरांत रिगपी वाऱ्याच्यो तिस्त्यो
पांचव्या झाडांतल्यान पांचव्या तळ्यांत
देंवपी पांचवे मळब बोल्सांत घालून
एक - एक सूर्याचो कुडको तोंडात उडोवपी धवोफुल्ल दीस
सर्पाभशेन वेंटाळें घेवपी खोशेचो भोंवर
आनी दाडवणां हालयत जिवीत सुगूर करपी
गायेच्या तोंडांतलो काळ

काबार जावपाचें नांव ना घेवपी सूर्याचो फॉसफोरस
जंय क्लच दामून जिण गियारांत घातलेलीच आसता
थंय आमी खेळूया संवसार निर्मितीचो खेळ
जंय अमोघ वीर्याचो संचार परास्त करतलो ते खीण
आनी तुज्या - म्हज्या अहंकाराची भूंय
प्रस्थापित जातली
तेन्ना मरणाच्या ह्या शारांत आमचें मुखामळ
शाबीत दवरपाचो सुयोग आमी वगडावचो न्हय
तुजे बगर हे कांयच शक्य ना

डार्लिंग, म्हजी आस नाशिल्ली गिनिज बूकांत बसपाची
बेबीलॉनच्या हॅंगींग गार्डनाचें अजाप उजरयत बसोन
इतिहास जावपाची
एफेल टॉवर्सावेल्यान जमनीच्या खोलायेंत उस्कार सोडपाचीं
सिलिकॉन वॅलींत ग्रीन कार्ड होल्डर म्हण मिरोंवपाची
वा इजिप्तांतल्या पिरामिडांतल्या ममींच्यो
वस्ती देंवोवपाची
म्हणोन सांगता डार्लिंग
तू उगड तुजी दोळ्यांची कवडूलां
नव्या येवकाराच्या नव्या उर्मेन
सरूं दी म्हाका भितर
आनी माय लव्ह,
गाढ न्हिदेंत मग्न जाल्लें तुजें फांतोडे वयलें सपन जावन
व्हांवोवन वचूं दी
भंग जाल्ल्या म्हज्या सपनांचे अवशेष घेवन
आदिम काळखाच्या आदिम उगडासाच्या म्हासागरांत....

●●

ती

तिणें म्हटलें हो पुरूष प्रधान समाज
हाका बंद मुठींत धरून
संस्कृतीक एक्वेरियमांत दवरपाचें
जाल्यार किदें जावं येता
तिणें दीसांच्या नजरांच्या पायथागोरसाचें अध्ययन केलें
आनी जगपाचें गणित सोपें जालें
दीस आनी रात मोटवे करून
तिणें एक पावल मुखार माल्लें अंडरवर्ल्डच्या तक्षशिलेंत
रस्तो दोन पावलां फाटी सरलो
तिच्या दोळ्यांतल्या कुपां आड वचपी
सेक्सी चंद्राच्या मुखामळावयले दाग पळयता पळयता
म्हज्यांतलो पुरूष नश्ट जायत गेलो
ती तरन्नूम न्हय

ती केन्ना एकदां गृहलक्ष्मी
सोडून गेली कुळमर्याद
खोदूळ करून सगळी न्हंय
विशाल दर्यांत मिसळून गेली
कुलपाद करून देगेवयल्या जीव - सृश्टीक
तरीय तिच्याच त्वचे सकयल्ल्या खोल खोल पृथ्वींत
आयजूय मेळ्ळीना तिका तिची वळख
आपल्या दोळ्यांतल्या दूकांनी धांपले तिणें आपलें थोडे आंग
ती भुवनेश्वरी न्हय

ती केन्ना एकदा सत्याच्या चौकटींतल्यान
प्रदुशित समाजांत पावलीच ना
पूण जेन्ना स्वार्थाच्या ऍपलाची
आस आदमा संगतीक तिकाय जाणवली
तेन्ना तिणेंय मोडून उडयली चौकट
आनी सभेमाजार प्रदर्शित केले
आपल्या अस्तित्वाचे दिंडवडे
सुरक्षित समाजान मोडली तिचीय चौकट
आयज ती सोदता आपल्याक
आपल्याच नदरेच्या हिमालयाच्या पायतळाच्या काळखांत
ती झहिरा न्हय

केन्ना कोणतरी येता वाऱ्याच्या पावलांनी
पावलांचो आवाज वाजय नासतना
काळीज पांघरून
दोळ्यांतलें बिंब रंगांनी भिजयता भिजयता.
काळजांतल्या वण्टीचे घड्याळ
मात्शें फास्टूच चलता
तें येवप मालकंसाचे सूर शिंपडीत आसता.
ती फाट करून गेली समाजाच्या धा तोणांक
म्हणोन केन्नातरी येवप्याचें अशें येवप नाकाच दिसता
ती जेसिका न्हय.

तिच्यांतली 'तिका' वगळायत जाल्यार
ती आदितीची 'ती' उरता
अनादि अनंतांतली पृथ्वी
संस्कृतीच्यो गुडयो घेवन रस्तो चलतना लेगीत
तिच्या मनांत वाजत आसतात
रात्री पोलांतली आयदणां
काम आनी घाम म्हणत एकमेकांच्या संवसाराचीं
दूखां वांटून घेयत कामावयल्यान परतोवपी ती

घरा परतं नासतना कामांत परतता
ती हिरकणी न्हय.

तिच्यांतल्या 'तिणें' केली म्हायुध्दां
आनी प्रस्थापित केल्यो पारेती संघराज्याच्यो
'लेडीज फस्ट' अशें मनांत रूजोन
तिणें निशेध केलो 'जो जिता वही सिकंदराचो '
आनी स्वागत केले ३३% आरक्षणाच्या काकुटेचे

... अशेंच केन्नातरी येवपी येवन वयतायबी
वयता तेन्ना कळटा
सुर्य उदेतालो आनी अस्तमतालोय तिच्या दोळ्यांत
शेकड्यांनी समदीरांची घनगंभीर गाज आशिल्ली तिच्या मनांत
वाऱ्याचो सुस्कार जावन ती काळजांत देंवलेली
आषाढ पावळी जावन उस्कारांत भरशिल्ली
तांबडें - तांबडें रगत जावन रंध्र - रंध्रांत सामावल्ली

पोस्ट मोर्टमा उपरांतूय तिची वळख पटलीना
जिचें मुखामळ पावसाभशेन आशिल्लें
जिच्या केसांच्या रानांत रातराणी रात सोदताली
दोळ्यांत म्हासागर आशिल्लो
आनी वोंठार संवसाराची जीवसृष्टी फुलिल्ली आशिल्ली
ती 'ती' न्हय.



आय अँड टी

तुमच्या वांगडा रावन म्हाका अशें दिसूंक लागलां
कि संवसार दिसता तितलो व्हडलोना
खूप धाकटो आसा
म्हणोनूच घडये खचान खच भरिल्ल्या
संवसाराचे रूपरंग हांव पळोवक शकता

तुमच्या वांगडा रावन हांव मळबाक हात तेंकोवक शकलो
कूपां वांगडा आपाय - लिपाय खेळूंक शकलो
ह्या भूंये भायरूय तोंड भायर काडून ब्रम्हांड पळोवक शकलो
म्हणोनूच घडये दरेक गजालीनी
हांव देड मिटर खोल वयता.
त्या गजालींतल्यान गजालीं खातीर
किदें - कित्या खातीर
मनीस आनी संवसाराच्या निर्मितीमेरेन
मळब आनी भूंयेच्या पोंता मेरेन
दीस आनी रातीच्या वयेंमेरेन
सरसकट अणभवासैत
म्हणोनूच तुमच्यावांगडा रावोन म्हाका अशें दिसूंक लागलां
कि हांव नेणारांपैकी न्हय

आनी अशक्यांपैकी तर न्हयच
कांय गजालींचेर दुबाव उप्रासता ती वेगळी गजाल
तसो सगळोच इतिहास आमी कांय कडेक दवरूंक शकनात
कांय फाटल्या गजालींच्या आधारानूच आमी मुखार आयल्यात
हें हांवूय विसरूंना
केदोय व्हडलो दर्या हांव म्हज्या काळजांत साठोवंक शकतां
उज्याचें लेगीत दहन करपाची तांक म्हज्या मनगटांत आसा
केदेंय व्हडलें मळब तकलेर घेवपाचे सामर्थ्य म्हज्यांत आसा
कितलोय काळोख दोळ्यांत बंद करपाचें मनोबळ म्हज्यांत आसा
एकूण शुन्यांतल्यान संवसार निर्माण करपी म्हजे हावेस
गोरवांच्या गोट्यांत लेगीत व्हियेल्यार
तें खंयच्याच खूरसार जीव सोडपा इतले अशक्त
केन्नाच आसचेना
म्हणोनूच कल्पना चावला प्रस्थापीत करूंक शकलें आत्मविस्वासाचो शिलालेख
संवसाराभायल्या अवकाशांत लेगीत
भूजां जरी धांकटी आसली
तरीय संवसाराचो खुरीस व्हांवोनूय पूरो इतलीच आसात
म्हजें दूःख, सैमीक आपत्ती, आतंकवाद आनी झुजांच्या
विध्वंसाच्याकूय व्हडलें आसलें
तरीय हांव विचलीत जालो ना
तोल आनी ध्येय हांवे थीर दवरल्यात
नदरेंतल्यान - नदरेमेरेन
जीणेच्या उस्कारांक विसवासाचें नांव दिवन
जल्म आनी मरणांमदलें जे जिवीत आसा
तें म्हजें. देवाचें न्हय.



धा जाण

ऑक्टोबराच्या धा तारखेक
धा जाणांनी देवाच्या मुर्तीची स्थापना केली
तेन्ना सगळ्यांक देवाचेर विसवास दवरचोच पडलो
धा तोणांच्या रावणाक धाव्या दिसा माल्लो
म्हणोनूच धा जाणांनी दसरो मनयलो
धा जाणांक रावपाक घरां नासतना लेगीत

गांवच्या धाव्या सरपंचान
चावडेर धा वरांचेर
धा जाणांचो भौस आफयलो
धा जाणांनी शेत आनी खाण्याचेर उलोवप केलें
धा जाणांनी धा वर्सांनी
एकदां खाण्याचो प्रस्ताव सुचयलो
धा जाणांनी वर्सानवर्स म्हण्टतना
'आतां शेतां नुकसाणातूच रोंवची पडटात'
हेंवूय समजयलें
आयज भौसाक येतना
धा जाणांच्या घरा गातनी पावलेल्यों
ते ताचेकडें प्रामाणिक रावल्यात
'आतां आनीक शेतां रोवचीच न्हय'
हेंवूय मताचे आशिल्ले धा जाण
खाजनाच्या शेतांनी आतां उदकूच उदक
पळोवचें पडटलें धा जाणांक वर्सूयभर
'उपासनारीचे दीस परत येतले'

धा जाणांनी अदमास केलो
धा जाणांनी नुसत्याचो वालोर सांगलो
धा जाणांचो भौस वादांत देंवलो
निषेध, गाळीं, झगडीं, रगतां सगळें जाले उपरांत
धा जाणांच्या गांवांत पुलीस आयले
पुलीसांनी धा जाणांक भितर उडयले
ज्या धा जाणांनी खाण्याचो विरोध केल्लो
तरीय शेतां वांचोवक सोदपी
आपलो जीव वांचोवक शकलेनात
धा जाणांनी मानशेची कवडां उत्ती केली
शेगीत धाव्या वर्सा
शेतांतले कश्ट आतां विसरायेर पडटले
शेतूच आतां इतिहासांत बसतलें
धा जाणांनी आपल्या दोळ्यां सामकारा
आपली सपना मोडून उडयली
नुस्त्याची रूच वगडावपाक शक नाशिल्ले धा जाण
धा जाणांच्या मरणान बेजार जाल्ले

ऑक्टोबराच्या धा तारखेक
धा जाणांनी देवाच्या मुर्तीची स्थापना केली
तशीच ओंदूय त्याच दिसा धा जाणांनी
धा जाणांचे यादेस्तीक बांदले
कांय खीण जायना गांवचे धा जाण
तोंडार इल्लेशें हांशें हाडून खूश जाले

धाकून टी. व्हीर माराडोनाक पळयलो
आनी एक झेर दामून लायलो .....



दोंगरेवयल्यो कविता - २

परत जल्म आसता जाल्यार
गर्देत रावन सुध्दा सांडोवन वचप म्हजेकडें जावचेंना
जावचेंना म्हजेकडें लोकांक फुसलावपाक
लाळे गोळे करपाक
जावचेंना म्हजेकडें जप्त जाल्ल्या संवसाराक सोडून हाडपाक
हाती वयल्यो रिस्को घुंवडायता घुंवडायता
परत सोंपतलें जिवीत
एकट्याच्याच भिरांतीसांवन पैस
हांव म्हजे सारखोच आसपाक जाय
जसो,
हांव वयतालो च्यायेक माधूगेर
पानकें आनी सुकूरउणें खावपाक
पितालो च्याव पिररोंत रकोवन
वयतालो हांव बिबे चिरपाक
तोरांकण, वोवलां पुंजावक
खेळटालो हांव बेद्यानी, लगोऱ्यानी
आनी धांवतालो दूरगांवेल्यान
धरचेल्यांनी खेळटा खेळटा कालसांव लोयटालें
केन्नाय एकदां भोंकार पिंजतालें

आई बडयताली
आलपेन लावन तेंच कालसांव घालून
एक पाटी, एक चित्रबोध घेवन शाळेंत धांवतालो
मदले सुटयेंत पेजेक येतालो
येता आसतना किकिली जगमां
वासूलें राजआवळे फातरयतालो.
दनपारचो जेवल्या उपरांत उदकाडें वयतालो, फाटले पाज्जेर
आनी डबो पाज्जेर सावन घरार उडयतालो
एक दीस पाज्जेवेल्यान देवतां आसतना
कड्डांतल्या काणेराचेर पांय पडलो
हांवें कच करून आंग काडलें आनी उक्त्या मळबाक लायलें
काणेराक पांयां पडलो,
'चुकलो, तुजे वाटेन तू वच हांव म्हजे वाटेन वयता.'
काणेर हूं नू चूं करी नासतना तणांत मुंगरत गेलो
वांकडो तिकडो जायत

हांवें नाचयल्यात तरगां इत्रुजाच्या मेळांतली
सटी म्हजे माये म्हणत
'देव देंणलो, पावस शेणलो' म्हणत
नाचयल्यात गुडयो देंणल्याच्यो
पडलां गडो कमरेक तोरां आनी
गळ्यांत काजूमुट्टे बांधून
'आमची होळी आंब्याची .....' म्हणत
यादींच्या चुलीर म्हाका खतखतून वचूं दी
म्हज्यांतल्यानूच ह्या जल्मावांगडा
मुखावयल्या सगळ्या जल्मांचे आदन आटोवन वचंसर.



युगां जाली

युगां जाली
काळखाच्या समदीरांतल्यान
मुखार सरपाचे म्हजे यत्न चल्ल्यात
हांव नकळो खंयच्या आशेर
येवजून आसा कि म्हजेय दीस येतले म्हण
चारूय वटयां अनंत शिंपडिल्ल्या
ह्या मळबापोंदा
सोदीत आशिल्ल्या म्हजे नदरेक
दिश्टी पडटा एक सुकणें
एका लांबशा सुस्कारांत
हांव रिगयता म्हाका म्हज्यांत
म्हज्या अदमाराच्या आधारान
जमीन लागी आसा
झाडांय आसतली
घरांयबीन
तेन्नाच्यान हांव चलत आसा...

सुकणें दिसलां
झाडांय दिसली
घरांयबीन
आतां जमीनूय दिसतली
रोकडोच हांव जिवीत पितलो
घटाघट
ह्या आशेची फाट धरीत
म्हजें मुखार सरप चल्लां
शेवणें उडोवन गेल्ल्या ते दिकेन
झाडां दिसल्यात ते दिकेन
घरां दिसल्यात ते दिकेन....

कोलंबस वाट चुकलो
तरीय तो जमनीर पावलो
म्हज्यांत कोलंबस थोडो
वास्को - द - गामा चड रिगलो
रगतांत सत्तेचे राजकारण करून
म्हण घडये कितलीशीच युगां जाली
काळखाच्या ह्या म्हासमदीरांतल्यान
मुखार सरपाचे म्हजे यत्न चालूच आसात.

... तडीक पांय तेंकोन
आयिल्ली परतीचीं ल्हारां
म्हाका वाटेर मेळ्यार
युगां जाली.



भूक

संवसाराच्या दुकनांत बसलो म्हण्टगीत
दूख वाडत वयता
तेन्ना थोडोसो विसर पडटा भूकेर
आनी भूक झाडाच्या पानाभशेन पिकत वयता
पूण पडचे पयली दोन उतरां शाणेपणाची सारोवन वयता
भूक कुड्डी आसता म्हणोनूच जिवीतांतले खूपशे प्रश्न
नजर अंदाज करचे पडटात
कांय मागण्यो मंजूर करून
तशे सगळेच नजर अंदाज केल्ले खीण
चार्ज जातात अशे नासना
नजर अंदाज केल्ल्या खीणांक लागता उजो शॉर्ट सर्किटान
आनी उबो संवसार जळत वयता
जिणेर जिण हुलपत वयता
तेन्ना भूकेच्या उज्याची सोबित सुंदर कविता घडत वयता
आळयत भूकेच्या जुल्मांचे सूर

भूकेक अंत नासना म्हणोनूच तर
ताटांत आशिल्ल्याकूय भूक लागता आनी नाशिल्ल्यांकूय
आशिल्ल्यांच्या ताटांत फुलत आसता
भूकेची मे फ्लाय संस्कृती
तशे भूक भागोवक आमचे निष्फळ यत्न चालूच आसतात
जिणेचेच करून आपटे - धोपटे
हाच्या उपरांतूय आमच्या पदरांत फातरूच एकठांय जातले
हाची जाण आसूनूय
त्या फातरांनीच आमी आमकां सावरपाचें आसता
सांवळेखातीर जांव श्रध्देखातीर
विसवास वा अंधविसवास जागोवपाचो आसता

हातीच्या नाडयेचे ठोके मेजपाक
भूकेक जागत रावपाक जाय
कलीक, मनशाच्या दैत्यत्वार परिक्षिताच्या पांचूय जाग्यांचेर
भूरळ घालपाखातीर
ज्या दीसा सावन भूक जाणवली त्या दीसासावन
स्वार्थ जल्मा आयलो
आनी स्वार्थाखातीरूच जिवीत जालें
म्हण तरीय थांबलीना भूक म्हायुध्दांच्या विध्वंसाउपरांतूय
थांबलीना भूक ययातीच्या रगताच्या पुताकडल्यान
तारूण्य उश्णें घेवनूय
थांबली ना भूक आवड्यांची
आनी आवड्यांच्या अंतर्मनांत विराजमान जाल्ल्या सत्तेची
तरीय दिसली ना काकूट सत्तेच्या पायापोंदा
मस्तल्ल्या संस्कारांची
शेकड्यांनी वर्सां चिड्डून दवरिल्ल्या सालेलीच्या कूशेंसाची

तरीय प्रश्न कालांतरान मरून वयतात
हे विदारक सत्य काळजाच्या कोपरींत बंद करून
आमी विकते घेतले धीम्या पावलांनी चलपी मरणाचे श्वास
युनीयन कार्बायडचो फॉसजीन गॅस
एस्.एस्.नॉर्वे (ब्लू लेडी)चो विखारी कोंयर भूकेचो प्रश्न मुखार करून
फक्त सार्वभौम सत्तेंत वयर येवपी दुश्काळाचो हात
नशीब दाखोवपी कपलावयल्या स्क्रीनीर धरून.
तशी भूकेन सदांच केल्या सत्तेची जीण चार्ज
धार्मिकतेच्या भावनांक लेगीत गुंठलावन
म्हण भूक चलत रावता निरंतर मक्केंतल्यान
जिणेर जीण मस्तून
तेन्ना मेल्ल्यांक सर्गाचे दार बेगीन उघडे जाल्ल्याचोय आवाज
भूकेच्या गर्भकुडींत गाजत रावता दरग्यांतल्यान....



अर्दी मर्दी

अर्दी मर्दी पळयता ताका हांव
पळयल्ले खेप ताच्या वळखींत
सुधार जायत आसा.

आयज ताणें पेटोवना
घडये ताणें सोडलें आसतलें
ताच्या खाडांतल्यान ताचे लिपिल्लें मुखामळ
आतां पूराय दिसूंक लागलां
आनी मिरयल्ल्या कातींतल्यान घडये
ताचें एकसूरें हाशें
वोणोव घालून येवकार दिता

हांव येवजीता...
दीस सुधारपाक लागल्यात
सरभोंवतणूय.

काळखाची सुलूस लागो नाशिल्ले ते दीस
परत येवपाक लागल्यात...
तो तरनाट्यापणांतल्यान भुरगो जाता
न्हय तो भुरगोच
आतां घडये सगळें पयली भशेनूच जातलें
पयलीचे दीस वळखीचे आसतात
जीणेंतल्या प्रक्रियेंतल्यान पासार जाल्ले आसता
वळख पटपा इतले
म्हणोनूच ते सोपे जातात हेंडल करपाक
मुखावयल्या दीसांचो अदमास नासना
घडये बंद मुठींत धा लाख
ज्या दीसांचो काळजाच्या संस्कारांक तेंक आसता
ते अणभव म्हण दर एकल्याच्या गांठीक उरतात

फक्त इतलेंच, तांचो उगडास जालो म्हण्टगीत
आमच्यात वेगळोचार घडटा
तरीय घाव्याच्या मूळांत दूक उरताच.

दीसाची ताप जमनीवयल्यान मळबाक झोंबना
पावस धरतरेवयल्यान कूपांचेर पडना
पृथ्वी घुंवत आसता तरीय ती आमकां जाणवना
तो खूष आसा, हें म्हत्वाचें

अदीं मदीं पळयता ताका हांव
पळयल्ले खेप ताच्या वळखेंत सुधार जायत आसा ....



आयज, खूप तेंपान

आयज, खूप तेंपान दिसूंक लागलां
म्हजो विसवास, जो म्हज्या सांवळे सारखो
सदांच म्हज्या वांगडा आसतालो
म्हजी कूड सोडून गेला

आप-सुवार्थाच्यो शीमो हुंपून
दीस चडटा - देंवता
तस - तसो हांव एकटोच उरता काय दिसता
रातीचो काळोख पावलांनी घुस्पता
आनी एक मळब अचळय शिंपडटा
हांव वाटेवयल्यान चलतल्या दरेक
अस्तुरे वांगडा न्हिदपाची आस्त बाळगून
जिवीतांतलो स्वैराचार पळयता
हांव कासीनोंतल्या रंगमेळ्यांत सामील जाता
आनी मेजावयल्या कोकटेलांतल्या गरमेंत
तांबड्या - काळ्या रंगांनी दवळटा
गरमेंतले मस्त मस्त मळब ह्या भुजांचेर
केन्ना तरी आजेन बांधिल्ल्या दोराभशेन
बांधून घेता

हांव चित्ता एक
आनी घडटा दूसरेंच
दरेक वाट चलता चलता म्हाका कळटा
चलून आयिल्ली वाट चुकीची आशिल्ली
खरेंच, हांव सामकोच उभगवला
जिवीताची वीस वर्सां तर
अर्थ नाशिल्ल्या सरकारी कार्यालयांनी
केन्नाच पाड केल्ली

आयज, खूप तेंपान
म्हाका दिसूंक लागलां
हांवें राना-वनांनी
दोंगोर-दोंगुल्ल्यांनी सांडोवन वच्चें
आनी काळाच्या दरवाट्यांतल्यान
भितर सरून आदम जावन
अव्वाचे योनींत बोटां घालून
निर्मितीचे सगळे उमाळे चिड्डून धरचे
आनी अणभवची
दुथडी भरून व्हांवपी असांस्कृतिक सुनामी

आयज, खूप तेंपान दिसूंक लागला
जगपाच्या यत्नांचे निमणें संस्कार करून
खंयच्याय दुसऱ्या संवसारांत मरून वच्चें
व्हावत्या काळाच्या न्हंयत
पाय हालयत.



अभिनव भारत

म्हाका याद आसा,
एक दीस हांव बरयता ते कूडींत
सूर्या वांगडा बसून हांव च्याव पिल्लो
आनी गायलेली आमी कातरां
व्हडल्या आवाजान
सत्त्या भशेन सुंदर शिवाची
म्हणोनूच हांव म्हजे म्हाका शेपरांत करूंक शकलो ना
सहजतायेन
पिडीत आनी सोशित समाजासांवन पैस.
हांव पळोवक शकलोना सुकलेल्या दोळ्यांतल्या पैसाव्यार
उबी आशिल्ली भूक आनी ती भूक भागोवक
गटार उसपावपी, तळपा फोडपी
आनी सुर्य माथ्यार घेवन आंग दपटोवपी हात
त्या कश्टांसावनूय वेगळो नाशिल्लो हांव

व्हावो व्हावत आसता
काळाच्या दिकेन काळाच्या गतीन
एकलव्याच्या आंगठ्याच्या रगतांतल्यान

खुरसावयल्या क्रिस्ताक मारिल्ल्या खीळ्यांच्या वेदनेतल्यांन
यहुदी जाल्ल्याच्या रादनोती मिकलोशाच्या
डेथ मार्चांतल्यान म्हज्यात ....
हांव कसो जांव पुस्तकांतलो किडो
कशें नदरे आड करूं मानवी मुलभूत हक्कांचे मस्तवप
कशें हांव म्हज्या नदरेक श्रृंगारून
जगपाच्या मोगाचे कातार गाव

दरेकाच्या पांखट्यांनी मळब मावना

हांवूय ह्या देशाचो नागरीक अशें आड्डोवन लेगीत
कोणेच घातलीना भीक म्हज्या आवाजाक
अपेक्षांच्यो सगळ्यो वाटो सांडल्यात
काळखाच्या भिरांकूड मोनेपणांत
भैरवीचे सूर न्हीदेतूच विरघळून गेल्यात
आनी घराच्या वण्टी - वण्टींतल्यान
आयकूंक येतात म्हासंवाद :
उबो राव
- रावलो
बस
- बसलो
उडयो मार
- माल्ल्यो

घराच्या दारांतल्यान पळयता हांव
मॅडसिडीज बॅन्झ, क्वॉलीस
हाऊझिंग बोर्डाच्या मुखावयल्या चाळींत
थंय थाटला बाजार
काळजां विकपाचो
चिमटीभर थुंकयेक लेगीत.

पोटाच्या व्यवस्थेच्या अवस्थेर हांव चित्ता
तेन्ना म्हज्या हातां आसता स्वातंत्र्य संग्रमाचो इतिहास
मंगल पांडेचो संचार, आझादांचो आवेश
भगतसिंगाची कृती
पूण वेळाकाळाच्या भानांतल्यान तोवूय पडटा सकल
आनी जाता हांव म्हाभोग
एका भिरांकूड अवताराचो...
शेगीत तीन वरांच्या पाशवी बलत्कारा उपरांतूय
ती उलोवक शकलीना 'ROHYPNOL ' चो प्रभाव
आनी शकलीना शीवूंक आपल्या अस्तित्वाचें कोपयाळें
आनी मुंबयच्याय ....

स्वाभिमान आनी विसवास हीं मानवतेची
मुल्यां उरूंक नात वा ती घोषणांचीय नांवा न्हय
ती जाल्यात एका मॅकनिज्मचीं नांवा
म्हणोनूच घडये मनीस आपूण न जाल्ल्याचें
दूखणें भोगीत आसा.

सूर्याच्या पोराकडें जरी सूर्या इतली तांक नासली
तरीय ताका आडोवपाक सामकें सोंपे नासता
पूण सूर्याचो पोरूच जर आपूण जांवन अडकोंक सोदता
जाल्यार ते वाटकूळी दिसपी भाकरी सोडून
वाटकूळी पृथ्वीच पायापोंदा घालपाक पसंद करतले
हातूंक कसलोच दुबाव ना.



जनरल शेरमन

नदर तुज्या तेंगशेर पावता पावता
मान लेगीत वोळोन गेली
तरीय हांव रावलो उबो भेंणार हात धरून
तुज्या सामकार
कॅलिफोर्नियाच्या सिकोया नॅशनल पार्कांत

हांवें उक्तायली तांक म्हज्या मनगटांतली
तुका पाळां - मुळां सैत उमटावन उडोवपाची
आनी आपणायलें तुज्या व्हडपणाचें आव्हान

हांव तुका मापीत गेलो
तुजी इल्ली - इल्ली उंचाय मनांत देंवोन
तरीय तू हूं नूं चूं करी नासतना
मट्ट उबो
तुजे पेक्षा म्हजेंच पावल दोन मेतरां
मुखार आशिल्ले
आनी हिंसेचो व्याभिचार म्हजे कडल्यान
कोंमेस जाता
हीं लक्षणां हांवे कित्याक अंदूवची न्हय ?

हांवें वांचलो तुजो इतिहास
तेन्ना तिच्या फांटीवयल्या इतिहासांत
तू खंयच कमी - सुबेज दिसलोना

सुखाचो सूस्कार घेवचो म्हण तू
एकांताक साद घालीत रावलो
तुज्यांतल्या एकांताक स्पर्श करीत
तू
संवाद सादयता ताचेकडें
जगता.
म्हजी मान बागवली
तुज्या मोनेपणार आनी तुज्या तटस्ततेर
एक सारख्या मोनेपणांत चिड्डोवन घेवपी तूं
आपल्याच हड्ड्यांत
हवामानाच्या बदलावांत लेगीत
तुजी कागाळ फक्त तुजेचकडें आशिल्ली

तुजे खांदये - खांदयेर बसून उडून गेली सुकणीं
आनी सोडून गेली सुस्कार तुज्या सांवळेंत
जळीं - मळीं हांव अणभवतालो
घडये त्या मोनेपणाचो उघ्दार म्हण
तुवें दिंली शिकवण अहिंसेची.
सदांच पांचवोचार रावपाखातीर,
मोनेपण आपणावप गरजेचें आशिल्लें ?
मागीर तुवें कित्याक सागलें
आपले सारखो धीर - गंभीर जावपाक
फस्कांतल्यो सगळ्यों काडयो भायर उडय
' हांव तुमच्या वांगडा आसा ' म्हण ?
पांच म्हाभूतां मेळोनूच संवसाराच्या
निर्मितीची संस्कृती उजागर जाता
आनी अग्नी तांतूतलो एक.
अणुशक्त ही फक्त विध्वंसक शक्त न्हय

म्हाका खबर आसा तुजी ताक आनी भूक
जेन्ना तुजो संघ परिवार आक्रोश करता

तेन्ना पृथ्वी हालोवक लागता
आनी संवसाराच्या तोंणार धुल्ल एकठांय जाता
तेन्ना संवसाराच्या नकाशावेल्यान
एक - एक गांव तुटत वयता
घडये मागीर परत बुनयाद घालता झाड
एका नव्या गांवाची.

तुज्या सांवळेंत उबो रावन
ती मोजता तिची वर्सां
तुज्या वर्सांच्या तळाक लेगीत ती उरना
हें खबर आसूनूय
ती हात घालता तुज्या विशाल काळजांत
तुज्या अस्वडीं
तुजें मोनेपण चोरपाक
खूप तापली
खूप व्यापली
आनी खुंटत गेली मुखावयल्या विघटक कारवायांनी
आतां केन्नाय येवजीचो संवसाराक
तिचो उगडास
काळजाच्या एक तारीर थीर जाल्लो

तरीय प्रश्न हो उरताच
चोरिल्ल्या मोन्यापणाचो
तें तिणें खंय दवरचें
मनगटांतल्या मुठींत
वा दोळ्यांतल्या दिठींत ?



दोंगोर पारपोळीचो

तुवेंच दवल्ले दाळाक लायिल्ल्या भशेन
फातरार फातर
गर्भकुडीच्या तळाक जीव्यांच्या सांगाड्यांचेर
ज्या हाडांचेर जीवात्मो चडलो
आनी गायली तुजी स्तोत्रां
ती स्तोत्रांय केली तुवें गडप
तशें आनीकूय खूप किदें दवरलें तुवें
संवसाराचे दोळे चुकोवन तुज्या अनागत आनी अनात्म भूचालांत
हड्ड्यांत सुकोन गेल्ल्या दूकाचे दाग लेगीत पुसपाच्या बदलाक

तांबें आनी पितळ, लोखण आनी भांगर
त्या मीनां भितरलो उजो
आनी त्या उज्यांत थरथरत हुलपावपी रगताचें थेंबें

परत कर तांका
जांका तुवें जिवें पुरल्यात
फातरांच्या रातींतल्यान पासार करून
धडधडूं दी तांचे काळीज म्हज्यांत
फुटूं दी तांची सपनां म्हज्या ह्या अनिकेत शिरंतरांत
ते खाय नाशिल्लें तुजें आयतें
तळपाच्या जमनीन अशेंच दिलेंना भात
दोन वेळेचें जेवण जेवतालें
आपलेच हात पाय धोपटून
कश्टांचे मोल म्हण
तरीय केन्नाच शीणलेना तुका
तुज्या वडिलाच्या छत्र - छायेंत
तेवूय तुजे भशेनूच सैम वांगडी आशिल्ले
सांग म्हाका तांच्या कश्टांचे माप केदें आशिल्लें ?
आनी हांसपाच्या विस्ताराक आळाबंद घालपी आडांबे
सांग म्हाका, ते कशे न्हिदताले
जेन्ना तांची जाग आशिल्ली ?
चंद्राच्या निंबाच्या झाडापोंदा आपल्या सपना वांगडा
सुशेग घेतला आसतलो ताणीं
कश्टसत्रांतल्या वेदनेवांगडा व्हांवत वयतना थोडोवेळ
द्वारका, मोहोंजदारो - हराप्पा म्हाका याद दितना
तुज्या भिरांकूळ रानांतल्यान गेल्यात ते
त्या देव - देवतांच्या उंचायेवयल्या शून्याकडें
जाचो ताणीं मिलेरांतल्या पयशाभशेन सांबाळ केल्लो
उजवाड आनी रेसपेदाच्या बोनेरां पोंदा
ताणीं कसलोच दवरूंना इतिहास फाटल्यान
तसो तांका कसलोच नाशिल्ली इतिहास
किंकोत
ते सुरक्षित आसात तुज्या तळांत जाल्यार
म्हाकाय रावो दी तांच्या संपर्कांत

रसतळाक गेल्ल्या तांच्या सपनांचो विध्वंस
म्हाकाय पळोवं दी
आयकोंव दी तांची ताळ्यांत न्हिवून गेल्ली किंळाच
व्हांवून वचूंदी म्हाका तुज्या पायतळांतल्या व्हाळांतल्यान
जगिल्ल्या तांच्या जिणेच्या शिरंतरांतल्यान
पावय म्हजो हात तांच्या शिंपडिल्ल्या दुखांच्या
अंतस्तलाकडें
तुज्या भूमिगत काळाकडें
तुज्या त्या निबर कडक आवाजाकडें

म्हाका अणभवूंदी तुज्या चपक्यांतलो कुड्डो उजवाड
हाड तें सगळें ह्या नव्या जिणेंतल्या पेल्यामेरेन
त्या पोऱ्या पूरयल्ल्या कळीन जागोवपी वेदनांक
आयकोवं दी म्हाका सगळें
पावलां कणकणच्यो घडणुको
आनी रडूं दी म्हाका दीसभर, रातभर, वर्सूय भर
कुड्ड्या युगाच्या पोंतामेरेन
दी ती म्हाका सर्वनाशा फाटली शांतताय

उलयात म्हज्या उतरांनो
म्हज्या रगतांत...



मुंबय : १७ जाने २००६

ह्या शाराचें नांव श्रध्देच्या म्हालसागराचें. शाराच्या गर्देत श्रध्देचो आवाज आसा, जो गेट वे ऑफ इंडियेंतल्यान दिसता.

सूर्याचे घोडे म्हज्या तकलेवयल्यान धांवतात, आनी हांव गर्देचो हात धरून चलत रावता जीव्या मनशांच्या उस्कारांचो स्पर्श सोदीत. वी.टी. स्टेशनांतल्यान भायर सरचे पयलीं एका नदरेंन हांवें पळयली बॉलीवूडाच्या वण्टीर बारबालांचो झेत दाखोवन एक तरनाटो खुल्ल्म खुल्ला शेंटां किसमिल्ल्या भशेन एका चलयेचेर मोग करपाचें नाटक करतालो.
सेंट्रल लायब्ररीच्या सोपणांचेर बसलेलो तरनाटो पाब्लो नेरूदाक कित्याक नामदेव ढसाळ वा अरूण कोल्हटकरांकूय वळखं नाशिल्लो तरीय शब्द मापतालो, कवींच्या सपनांनी दिकांतर करून. 'भाई' बोल्सांतल्यो कारतुशी किसयत सायबर कॅफेंत भोंवतालो, हातांतलो मोबायल घट्ट धरून डिजीटल लुटीच्या प्रशिक्षणाची वेबसायट सोदीत. एक तरनाटो जहांगीर आर्ट गॅलरीच्या सायडीक आशिल्ल्या ज्योतिषाकडें आपलें भविष्य घाणाक दवरपाचे यत्न करतालो, सांजेच घडये अख्खी मुंबय उदकापोंदा वचत हें येवजून. दरेक रंगांत ताका आपल्या रगताचो रंग दिसतालो आनी विध्वंसा उपरांतचो आवाज मनांतल्या कानांत गाजतालो.

दोळ्यांत मळब आनी काळजांत एके - ४७ दवरून एक भिकारी काकुटेच्या चिमट्यांनी दोळ्यांतल्या मळबाक गळोव मारून येयल्ल्या गेल्ल्याकडे हात फांफुट्टालो फुटपायरेच्या झाडापोंदा रावन.दादर.

हॉस्पीटलाच्या वाठारांत आशिल्ले कांय लोक मळबाकडें पळयतालें घडये पावसाच्या आशेन. सायडीकूच आमिताभाच्या भलायकेच्या आर्गांच्यो समिधा म्हायज्ञांत पडटाल्यो. राशनाच्या यादींत मग्न आशिल्लो एक तरनाटो मुखावयल्यान येवपी बसीच्या गोलाक धरून गेलो, तसों हांवें ताका मात्सो उसरांच पळयलो बसीच्या वोल्तार म्हापालिकेचें

महारोग्याच्या बोटांभशेन झडलेल्या पानांचे झाड आड पडलेलें, जनेलांतल्यान पळोवपी संवसाराचे. म्हजो इकोफ्रेन्डली सुस्कार.

एक तरनाटो "एक्सपोर्ट क्वालिटी " माल म्हण आडूडत चायनीज वस्तू लोकांच्या तोणार मारतालो ताका हिंदूस्तानाची ऍलर्जी आनी बोलसांतल्या हिरोशीमाच्या मातयेची खाज आशिल्ली.

'नेवल पे ऑफिसाच्या' वाठारांतल्या झाडाक गळोव मारून सिंगल च्याव पिता पिता मनांन कानांत सांगलें ज्या लोकांनी मुंबयक सगळ्या ऍंगलांतल्यान पळयली त्या लोकांनी मुंबयची माती तपासली आनी आपल्याकडें सुरक्षित दवरली. ' थीसीज ऑफ अंडरवर्ल्ड ' च्या अध्ययनाखातीर.

जेन्ना काळजांत तिळसान जाता आनी आई तुळशी पेढयेर वात लायता तेन्ना हें शार अरबी समुद्रांतल्यान वयर येता ओल्या आंगाचेर.रानांतल्यान परतल्ल्या गायेच्या पांयांत थोडेशें चलप अडखळून उरता,इल्लोसो धुल्ल् मुखामळार फारोवन उरता चिंतनाच्या मळबांत शब्दांची कूपां मात्शी घुस्पतात जळांमळां.

म्हाका दिसलें म्हजे भितर एक रिकामो जागो आसा आनी थंय कोणूय रावूंक शकता. म्हाका भिरांत दिसना केन्ना कोणाच्या धक्क्यान हो जागो भुंये सपाट जायत म्हण. हड्ड्यांत कलकल भरून दाराभितरल्या ताळ्यांत घुस्मटत म्हण. उदकांत उगवल्ल्या झाडापोंदा बसंता थोडोवेळ सांवळी.

दोळ्यांत दसोवन दवरिल्लें घडेगच्च मळब आशिल्लें. झाडां आनी मनशां कोमांत गेल्ली. भुरग्यांचे भुरगेपण आनी जाण्टयांचे जाण्टेपण थांबलेलें. दोळ्याआड जाल्ल्या मुंबयचे इ-फोटो पळयता पळयता फोटवांतूच जेवलो, झंवलो आनी झेंमलो, घडये फाल्या परत जल्म घेवपाखातीर- एका नव्या डायमेन्शनांत.

●●

बरे दीस

बऱ्या दिसांच्यो यादीं आमकां जिवीतांतली
उमेद दियत रावता
म्हण अदीं - मदीं आयिल्ल्या वायट खीणांचे
लावन घेवप नासता
बऱ्या दिसांची आस आमचे जगपाचे खीण
लांबयत रावता
घडये सपनांचोय संवसार उबो करता म्हण
तशें सपनांनी भारावन वचप सारखें न्हय.
आशेरूच मनीस जगता म्हण नव्या दिसाचो
नव्या उमेदीन येवकार दिवप चलता
बऱ्या दिसांचे येवप सकाळच्या उदेंल्ल्या सूर्याभशेन
आसताच अशें नासना
रातीं फाटल्यान दिसाभशेन नासता
गीमा फाटल्यान येवपी मिर्गाभशेनूय नासता
बरे दीस येतात घडये आमच्यांतलें बरें घेवन
आमकां बरें घेवन
आनी आमी खोशेन फूलतात
खूपदां पयली कळय नासतना
जें फूलता तें बावताच
जें बावना तें फुलचेंच नाशिल्लें
म्हण बऱ्या दीसांक घट्ट वेंग मारून रावक मेळना
सोंपेपणान हिशोब दवरपाकूंय जमना

बरे दीस येवचे म्हण तांच्या सोदांत आमी हेडत आसतात
जळां - मळां आपटत - दपटत आमचे यत्न चालूच आसतात
त्या यत्नांनी आमी तुटोवन लेगीत शिंपडटात
आनी तुटपांत सरभरसून लेगीत वयतात

मिरसांगेंतल्या तिकसाणेभशेन
खोबऱ्यांतल्या तेलाभशेन
काळजांतल्या उस्काराभशेन
आनी धरतरेंत पावसाच्या उदकाभशेन

बरे दीस ;
१५ ऑगस्ट
१९ डिसेंबर
दिवाळी, नातलां, ईद
तशेंच भूंयेगत जाल्ले आतंकवादी सांपडटले
तेवूय बरे दीस आसतले
पूण ह्यावूय दिसाचो मनांतांवन विरोध करपीय
हांगसर आसात.
म्हण सगळेच बरे दीस, सगळ्यांकूच बरे आसता
अशें नासना

बऱ्या दिसांत आमकां पालय येयत रावता
आनी घडये खांदये - खांदयेन
मळबभर शिंपडपाचे आवडे
गळ्यामेरेन पावतात
तेन्ना पाड दिसाच्यो यादी हुलपावन वयतात
हें सगळें आमी बऱ्या दिसाक कसो फुडो करतात
हाचेर आधारीत आसता

मुखावयल्या दिसाची दडगत नासता म्हण
बऱ्या दिसां खातीर फुडाराक आकचो न्हय
पूण बऱ्या दिसांखातीर आमी झुंजत रावपाक जाय
त्या झुंजपांतूच आमकां घडये मेळूक शकतात
बरे दीस.



किदेंतरी

बोमाड्यांत वारो भरिल्ल्याभशेन
फुट्टलो पातकांचो संवसार
आनी मनशाच्या फारिकपणान
वितळत वयतली पुण्याची कमाय
रसतळाक

रातीच्या काळखांत बुडोवन वयता संवसार
तसोच घडये नश्ट जातलो
मनशाचो वंश
आनी मागीरच्या थाटपाचें स्वरूप
घडये अधांतरीच उरतलें
काळखाच्या पोटांत संवसारभराचें गुपीत आसता
म्हणोन मनशावांगडा सगळें नश्ट जांवचेंना
किदेंतरी उरतलेंच फाटल्यान
उरतली भूक,
दोळ्यांत तोंपपी काळोख
आनी खंयच्यानतरी
घडये शेकड्यांचो संवसार कोंमेस जातलो
धर्म आनी संस्कृतीची फास्की चडोवन
तेन्ना घडये मनीस कुळयेच्या पातकांचो खुरीस

खांदार मारपाक क्रिस्त आसचोना
उजवाडाची शिकवण दिवपी बुध्द नासचोना
आनी कोणतरी सोदीत रावतलो
सहस्त्रकांच्या काळा उपरांतूय
शेकड्यांच्या मनशाच्या हाडांचे अवशेष
डायनोसराभशेन
सुक्या वांगडा ओल्याच्याय अदमासासैत

पाप - पुण्य, बरें वायट
सगळें नश्ट जातलें
सर्ग - नरकाची संकल्पना लेगीत
घडये नव्या समजोवणेखातीर
भांगर - पैशांच्या स्वार्थाचो संवसार
मातये भरवण जातलो
इसपिकांच्या बिल्डिंगांभशेन
तरीय घडये उरतलें संवसाराचें अबाधितपण
ब्रम्हांडाच्या संतुलनांत
आनी संवसाराच्या मातयेची कूस
जिणें सगल्यांक एकेच भावनेन वेंगेंत घेतल्यात
दूस्वासाचें खंयचेंच रूप दाखयनासतना
घडये मातीच सांगतली आपलो इतिहास
मोग - मोयपासाचो, अन्याय - अत्याचाराचो
डी. यन. ए. टेस्टीभशेन

भारत वा अमेरिका सोदूंक वचपी
कोलंबस नासचोना
मुक्ती आड झगडपाक
ब्रिटिशांची जुल्मी सत्ता आसचीना
वंशभेदाआड उबो रावपाक लिंकन नासचोना
तरीय नवो संवसार उबो जातलो

घडये पोन्र्या संवसाराच्या आधारानूच
मोहोंजदारो आनी हडप्पाच्या सोदान
म्हणोन म्हणटा सगळें नश्ट जांवचेंना
किदेंतरी उरतलें फाटल्यान
अपाट्य जाल्ले शिलालेख !
दर्यांत बुडून आपलो इतिहास सांगपी द्वारका
आनी वानरांच्या सेनेचो पूल
घडये परत उबे रावपाक
नेणारपणांतल्यान नव्या फातर युगाक
तेन्ना कोणतरी कोणाच्यातरी पुण्याईचो उगडास करून
संवसाराचो स्तोत्र गायतलो
आनी घडये तो पुजपाकूय बसतलो
निर्मात्याचो मुकूट चडोवन
सगळीं जनावरां, सुकणी, पेडां
नश्ट जातलीं
आनी नव्या जीव सृश्टींत
नवी जनावरां दिश्टी पडटली
घडये रावणाच्या तोणांची
जरासंधाच्या म्हाकाय अर्धांगांची
हिरोशिमांतल्या अर्भकांची
विचित्र विश्वाची
तरीय उरतली सोबितकाय अंतराळांत
फरक इतलोच
ती पळोवपाक आमी नासचेनात
आनी आमच्या किदेंतरीच्या सोदांत
तांचे जिवीत सरतलें.



दूख

हांव पळयता
एक मनीस
आपलें दूख काळजान जळोवन
देवाच्यो आरती करतना
घडये निमणो आधार म्हण
तो देवाखातीर रगत आटयता
जो फकत घेवप जाणां

एक मनीस
आपलें दूख खांदार मारून
शेत खणपाक वयता
सुर्य माथ्यार घेवन
तशे वर्सूयभर ताचे जीव आपटवप चालूच आसता
त्रासांचे फळ केन्नाच मेळचेंना
हें ताच्या अदमासाचें माप दिसान दीस
भरत आसतनाय

एक बायल
रेशनाच्या दूकानार उबी आसा
भुरग्याक हाण्णीर मारून
सकाळ सावन
तिचेकडें लिपोवपाच्या सवयेचो पर्याय नाशिल्लो
म्हण ती दडोवक शकली
आपलें दूख
राशन कार्डाच्या पानांभितर
अदीं - मदीं हाण्णी वयल्या पोराक हांसोवपाक

तें रडटना.
एक मनीस
आपल्या दूखांचो आधार घेवन
बडी तेंकयत चडटा
सरकारी कार्यालयाची सोंपणा
आदेसांचे आदेस माथ्यार मारून
तो निरशेता
आनी पळयता गडेगच्च भरिल्ल्या मळबाकडें
मळब निकतेंच थांबलेलें आसता
दूकां पुसून
'आपलें दूख तर कांयच न्हू '
असो अदमास लावन तो चलत रावता
रीकाम्या हातांनी

हांव पळयता
हांव चित्ता
घडये ह्या दूकांतूच दडलां आसत सूख
आनी सूखांत मोक्ष
हांव सोदता सूख
पूण म्हाका रानवाटेन वचपाचेंना
सोबित सुंदर यशोधरेक
आनी मोनजात मनाच्या राहूलाक
काळखाच्या रातींत सोडून.
म्हजे हात - पाय घट आसात
हांव भीक मागोन पोटूय भरचोना
भिक्षूक जांवन
घडये बोधी रूखांपोंदां बसून
म्हाका बुध्दूय जावपाचो ना.



रस्त्यावयल्यान एक बायल

बायल वयता रस्त्यावयल्यान
कापडाच्या पालवान कपलावयलो घाम पुशीत
भूत काळांतलो काळोख
माथ्यावयलो भौरंगी सैम
आनी विचित्र समाजाविशीं
कांयच खबर नाशिल्ल्याभशेन
ती बायल....

राटावळींची वस्नी फाटल्यान उडयत
कापडांत वारो आंग भरून
पेंवता बायल
ताकतिकेच्या पावलांचे
भान नाशिल्ल्याभशेन
झाडां वयले कावळे उडटात
काव काव करीत
बसतात परत
तिचे मुखार भिरभिरतात भिरमुट्यो
लांब जावपी वाट घुस्पता पावलांनी
आनी वारो तिच्या कापडाचो
हुंबयता पालव
तिणें वाडयल्ल्या पांयाच्या ताकतिके सावन

बायल रस्त्यावेल्यान वयता
घडये आपल्या जिवीतांतल्या
सूख - दूखाचो भार घेवन
तरीय असल्या वचपांतल्यान
तिच्या वयपाक

कोणाक फरक पडचोना.

बायल चलता झपाझप
मळब आंगार घेवन
एका एका लांब सुस्कारा वांगडां चलता चलता
बायल काडटा तणांतलें फूल
तकलेवयल्या केंसांत खोंवपाक
बायलेक कोण पळयना
ना जमीन, ना मळब
ना उनत ना वारें
ना मानवतेर भाषण दिवपी
ना स्त्री - मुक्तीक आडोशाक धरपी

पांच हजार वर्सांच्या उत्क्रांत इतिहासान
बळीचो बोकडो जाल्ली ती
चलत रावता
हुंवारांतल्या मातयेभशेन
वाऱ्यांतल्या कापशीणीच्या झाडाभशेन
फक्त सांडपाच्या दिकेन....
तिच्या वचपान घडये
इल्लोसो जागो रिकामो जातलो
पूण परत कोणतरी बायल
तो जागो भरपाच्या यत्नांत आसतली
घडये सांडपाची तरा दूसरी आसूं येता
ऐन वेळाची.



म्हायुध्दां उपरांत

अठरा दिसांच्या युध्दा उपरांत
अनाथांचो
विधवांचो हस्तिनापूर
मनशांच्या मासांचो दर्प घेवन
थरथरलो आपल्या दोळ्यांतल्या काळखांत
भुखावयल्या काळाक जाप दिवपाक
'कित्याक जालें हें युध्द ?'
'कोणें केलो हो रगतोत्सव ?'
'कितें फुडार म्हाभारताचो ?'

एक घर, एक कुटुंब
एक भास, एक वंश
तरीय झगडले कौरव - पांडव
चवाट्यार उडोवन कुरूवंशाची लज
एक - एक भिराकूड मरण येवजिल्यार
काळीज पिंजून वयतालें
मानवतेची मुल्यां विभाडून
तरीय जाले विचार विनिमय
दीर्घ चर्चा, म्हाबसको

तरीय आयलीना मडीं कुरूक्षेत्रावयल्यान उठून
आपल्या घरा - दाराचो दिवो लावपाक
तरीय मेळ्ळीना एका रातीची लेगीत
सुखाची न्हीद जीवे आशिल्ल्यांक
अठरा दिसांच्या युघ्दा उपरांत
एक - एक घर कोसळ्ळां
बिरमत फुटिल्ल्या मोनजात काळजांची
दांत - वोंठ किल्लून दिल्ल्या
शापांची उग्रताय घेवन
ते परिस्थितीक काळजांत दडोवन
वेळा काळाचें भान दवरून
कौरव - पांडवानी गायलें गाणें
ग्लोबल व्यासपिठावयल्यान
एकचाराचें
मोग - मोयपासाचें
विश्व - शांतीच्या म्हाकुंभाचें
सगळीं दूकां सारकीच वाटूंन घेवपाचें

एक भूंय - एक मळब
एक काळीज - एक सपन
म्हणत कितल्योच कबलाती केल्यों
संहारक अवजरां नश्ट करपाच्यो
जाल्यो उच्च स्थरीय बसको
शिखर परिषदो
वण्टी - शीमो काडून उडोवपाचे प्रस्ताव
पास जाले
दिसलें, कौरव - पांडव एक जाले
मानवतेचे दीस आयले
संवसार उजवाडांत
अशांत कलींग सुखावलें
बुध्दम शरणमच्या मंत्र घोषांत

जगपाचे यत्न सोदता सोदता
एक बॉम्ब हिरोशिमार पडलो
आनी उदेंतेकडले चडशें मळब जळून गेलें
उरिल्ल्या मळबाकडें आशिल्लें
मादाम सुमिको फुरूत्सुकीच्या
'नेवर अगेन हिरोशिमा' च्या आगांचें
भावनाप्रधान काळीज

मागीर ताणी न्युक्लीयर युध्द कोमेंस केलें
व्हिएतनामाचें अस्तित्व पुसून उडोवपाक
आनी सुवादीन करपाक काळखाच्या
सगळ्या शीमांचे अधिकार

अठरा दिसांच्या युध्दा उपरांत
काळखानूच आमकां आमचे कडलें
नातें सांगलें
तरीय कारगिलाच्या सपनांत
कुरूक्षेत्र कुशीक घेवन
एक नवो सिमला करार सय जालो.



मानाय

तुका कळ्ळें,
वेठ बिगर पध्दत बंद जाली, कायद्यान
मनांत मुक्तीच्या सुकण्यांचें भिरें
मळब वेंगेंत घेवपाच्या तयारींत रावलें
पूण उडपाखातीर पांखट्यांत तांक आसची पडटा
उर्बा आसची पडटा
हाची जाण जावचे पयलीच
कायदो चौकटीत बसलो
तुज्या निरशेवणेची मागीर गतूच जाली

युगांच्या लुटींत हांवें पळयला तुका
तू तुजेसैत लुटत वयतना
'संवसारांतल्या कामगारांनो एक जायात '
ह्या लेनीनाच्या उल्या उपरांतूय
कितलें लुटचें कोणें काणाचें रगत
कोणें कोणाचो घाम
लुटत रावचें केन्ना मातयेक
केन्ना मातयेंतल्या रगताक
तर केन्ना मातयेच्या मोलान तुजे सैत

वाऱ्यावयल्या दिव्याप्रमाण
तुज्या जिवीताचें फडफडप हांवें पळयलां
हांवें पळयला तुज्या घामाचो
चिमटीभर थुंकयेचो वालोर

तुका याद जाता ?

दीसभराच्या घामाचें मोल जेन्ना तुवें मागलें
तेन्ना तुका नक्षलवाद्यांचो कांट्याचो मुकूट चडोवन
सुळार माल्लो पातकाचो खुरीस म्हण.
तुवें बांधले विजयघाट, शांतीघाट, राजघाट
स्वार्थ आनी अहंकाराच्या भुशान भरिल्ल्या
तकल्यांच्या फुडाऱ्यांखातीर सुशेग.
तुवें उबो केलो हिरोशीमा, चेरनोबील, व्हिएतनाम, सायबेरीया
तुवेंच बांधलों ताजमहल, सूर्यमंदिर, लाल किल्ल्याच्यो वण्टी
नव निर्मितीच्या राष्ट्राची शान वाडयतना
तुजें रक्तबंबाळ जाल्लें हड्‌डें हांवें पळयलां
पाषाणी फातरांपोंदा चिड्‌डून जाल्लो तुजो अज्ञात अंत
माथ्यावयल्यान चिरे व्हांवयता - व्हांवयता
बुनियादीच्या तळांत सांडलेलें तुजें रगत
खणींनी निःशब्द जावन गडप जाल्ले तुजे आवाज
आयजूय आपटतात
म्हज्या काळीज नाशिल्ल्या अंतस्करणार ....

तुवें केन्ना दवरलोना हिशोब इतिहासाचो
ना तुजेकडें भविष्याचो
जें चलता तेंच जिवीत, तुज्या कश्टांकूय धरून
मानवतेची सुलूस
तुज्या अनिकेत शिरंतरांत.
तरीय तुवें केन्नाच मिरयलेंना
'ही भूंय श्रमिकांची' हें ब्रिद घेवन

दर युगान तुज्या अशिक्षितपणाचेच बॅनर लायले
दर दरवांट्यार
तुज्या जिवीत मुल्यांची गळचेपी करीत
कांयवेळ तुवें आयकलें रंगयाळ्या उतरांचें गुणगुणप

तुजीं पोरां शाळेंत गेली
तेन्ना रित्या घरान तुका उपाशीच दवरलो
आनी मातयेचो वास तुज्या वंशकुळयेक उल्लो
रिण काडलेंना जाल्यार सपनांत लेगीत
हद्दपार जाल्ल्या सूर्याचे दर्शन जालेंना
भाकरेचो चंद्र दिसलोना.

पावस पडलो म्हणटगीत
तुजे परिस्थितीक गळटी लागता
तुजें जमनीवयलें अतिक्रमण आनी झाडांचे कापप
जेन्ना थांबलेना
तेन्ना आनाड्यांची मुस्तायकी तुजो भेस जालो
तुवें कापली झाडां तुका रावपाक खोंप जाय म्हण
इल्लीशी जमीन तुका लंवडपाक
फांट तेकोंवक न्हय पोट तेंकोवक
जमनीचें आनी पोटाचें नातें सांगोवक
रगताच्या दूकांनी आपल्या नशिबाक दोष दियत न्हिदपा खातीर
जळजळीत जाल्लो आशावाद वेंगेंत घट्ट धरून
तोंडाच्या जबड्यांत चिविंग गमाभशेन चघळयत
फांयच्या उदेंतीची वाट पळोवपा खातीर

बंधू, आयजूय पळयता तुका हांव
झाडांच्या सांवळेवयल्यान वोगोत मापतना
तरीय तुजेकडें तुज्या पोटा शिवाय कसलीच तक्रार ना
आनी तू,
मर्ण हीच मुक्ती ह्या ठाम मताचो.



सत्ता

मोगाक आंधळेपण दिवचे पयलीं
मनशाचें माप घेवप गरजेचें
त्या मापानुसारूच मोगाचें पिशें पांगुरचें
व्हडांत व्हड त्याग करपाची तयारी दवरची
तेन्ना मनाक पक्कें करचें
मोग सत्तेचेरूच करचो

गरीबीच्या सुकलेल्या दोळ्यांत दोळे घालून पळोवचें
आनी मोग - मोंयपासाची दूकां दोळ्यांत एकठांय करची,
गरजेभायर
मोग राजीव गांधीच्या भाषणार करचो
लालूंच्या उलोवपार करचो
गांधी - नेहरूंच्या जीव नाशिल्ल्या पायणेलांचेर करचो
उब्या जिणेंत एकदां तरी वेंचणुकेंत उबो रावन
जिकपाची उमेद बाळगीतना
सुरक्षित फुडाराखातीर मनाक समजोवचे
मोग सत्तेचेरूच करचो

मोग मनगटांतल्या तांकीर करचो
उट्टां - बसतां मोर्चांनी फुडारपण गाजोवपी आवाजाचेर करचो
मोग रांपोणकारांच्या नुस्त्यार करचो
रेंदेराच्या सूरीर करचो
दीसान दीस बारीक जायत वचपी पोदेराल्या उण्यार करचो
सदींच्या जिणेंत राजकारण घोळयतना
राज सत्तेर प्रवचन दिवचें
वेळाकाळाच्या भानांतल्यान हात आवूळचे
मनाकडेंन तडजोड करची, सत्तेखातीर
मोग सत्तेचेरूच करचो

मोग वासनेचेर करचो
रांडेच्या अतृप्त भोगाचेर करचो
इंद्राच्या देवतुल्य नदरेर करचो
ययातीच्या भूकेर करचो
'म्हजो भोग घे' म्हण गळ्यांत पडपी
रंभेचो, शूर्पणखेचो आनी अंबेचो करचो
मोग गंगेच्या थानांचेर करचो
अहिल्येच्या कुल्यांचेर करचो
शकूंतलेच्या निळ्या - निळ्या दोळ्यांचेर करचो
आनी पांच - पांच दादल्यांक वांटून दिवपी
द्रौपदीच्या योनीर करचो
तेन्ना मात मन कुबेराच्या गल्ल्यार दवरचे
मोग सत्तेचेरूच करचो

मोग कदेलीच्या म्होव म्होव कुशेनाचेर करचो
मोग वाजपेयीच्या खांदार हात दवरून हिंदूत्वाचो शंख
फुंकपी लाचार जाल्ल्या 'एनडीएं' चो करचो
लोकशायेच्या दोळ्यांतल्या दुकांचेर करचो
घोटाळ्यांच्या फोंडार गडेगच्च उबे रावन

सभ्यतायेच्या संस्कृतायेचो बावटो फडफडायत दवरपी
कॉंग्रेसीचो करचो
मोग सत्तेचेरूच करचो
आदले दीस बॉम घालचे
आनी दुसरे दीस निशेध मोर्चे काडचे
शेगीत प्रसिद्धीच्या फ्रेमींत रावचें

सर्वधर्मीय प्रार्थनांत आनी राष्ट्रीय प्रसारणांत
रडगाण्यांच्या धुनींत चंदनाच्या सरणार
जळपाची खोशी वेगळीच आसता
आनी हें सत्तेबगर शक्य जायना

सत्तेच्या पायमुळां व्हडली व्हडली कुळां
मस्तून कूणो जाल्ली इतिहासान दाखोवन दिल्यात
मनूचें दायज चलयतना

सत्तेचो मोग हो संवसाराच्या सर्वनाशाकडें व्हरपी
खूप लागींचो रस्तो
काळखाच्या काळखांतलो पर्याय !



वसाहत

संवसार गंगेंत एका पायार उबी रावन
दारीद्र्य, जुल्म आनी अज्ञान हांच्या ज्वाळांनी हुलपत
दर एका दीसाच्या नव्या आशेर
जगपाचो हावेस ती पळयत रावली
तें कारूण्याचें उग्र तप पळयतां पळयतां
तिची पावलां चुकोन ती मनशांच्या वस्तींत पावली
कळ्यांचो सान निःश्वास
आनी वादळाचो आवेग घेवन
पूण तिचें मातृत्वाचें काळीज सगळेंच बदलून गेली
तिकाच स्वताक समर्पिताची ओंजळ करून
म्हणोनूच घडये ती वाचूंक शकलीना इतिहास
तिच्या हावेसांच्या मातयेच्या कुड्ड्या दोळ्यांनी
तिच्या फाटीवयल्या वसाहतवादाचो

सगळे जिणेंत तिणें तीनूच आवाज आयकले
एक कोंब्याच्या सादाचो
दुसरो चुलीर खतखतपी आदनाचो
आनी तिसरो तिच्या कपलार साम्राज्य करपी तिब्याचो
तिणें केन्नाच आयकलो ना सुस्तेंल्ल्या पोटांतलो देंकर
न्हिदेंतल्या सपनांच्या पावलांचो सान आवाज

पांचव्याचार झाडांची शिरंतरां शिरशिरावपी
वाऱ्याच्या पायजणांचो आवाज तिणें केन्नाच आयकलो ना
म्हणोनूच घडये तिणेंय केन्ना आयकलोना
तिचोच आवाज
नखेत्रांनी तर केन्नाच गायलेंना गाणें तिचे खातीर
रुखां - पेडांनीय केन्ना गायलीना स्तोत्रां
तिच्या चडटल्या जिणेर
नदर चोरयच्या भिरांतीन

फास्केबंद जिणेंत तिणे फक्त तीनूच रंग पळयले
एक रंग तिच्या घामाचो
जाचें नांव तिका केन्नाच आयलें ना
तरीय जाचे बगर एकूय दीस गेलोना सुको
एक रंग तिच्या रगताचो
जाका आशिल्ली खूपशीं नांवा
पुण खंयचेच नांव तिचे जिभेर येय नाशिल्लें
आनी एक रंग तिच्या घोवाच्या दोळ्यांचो
जाचो उगडास लेगीत येयल्यार ती
आपले भितरूच पिंसडून शिंपडटाली
म्हणोनूच आयजलेगीत कितल्याशाच पावसाळ्यां उपरांतूय
ती पळयता ताच्या आधाराक
रस्तो क्रॉस करपाक
सगळी धीटाय सांडयल्ल्या मशेन
जशें एक युग हुंपपाक
आनी आंगठयाच्या तीतांत रावन
आपले - आम्मल्याकूच सोदपाक.

●●

(संवसाराच्या अस्ताउपरांत नव्या युगान प्रसिध्द जाल्लो शिलालेख)

शिलालेख

थंय सूर्य पळयल्लो मनीस आशिल्लो
काळखाक फाट करून
जाची वळख कोणे तरी सोक्रेटीस म्हण केल्ली
उजवाडाचो सांगात घेवन चलपी बुध्द आशिल्लो
समृध्द जिवीताचो मंत्रघोष घेवन
आपल्या लेखणेच्या दिकेन संवसार घुंवडोवपी
थंयच मार्क्स आनी लेनिनूय आशिल्ले
आधुनिक संवसाराची बुनियाद बसोवपी
न्यूटन आनी आयनस्टायनूय आशिल्लें
सूरांचो जादू घेवन लताय आशिल्लें
तरीय आमी संवसाराक वाचोवंक शकलेना

थंय एकाच वंशाचे भुरगे ल्हान - व्हड जाल्ले
एकामेकां वांगडा खेळोवन एकाच घरांत
एकाच गुरूच्या शिकवणेंत
तांचें कडें संवसार जिंकपाची तांक आशिल्ली
खोंट मारून फातरांतल्यान उदक काडपा इतली
आनी युगंधराच्या मळबाची सांवळी

एकूण उजवाडाच्याच संस्कारांचे सूर आशिल्ले
तरीय आमी संवसाराक वांचोवक शकलेना

थंय प्रतिभेच्या संस्कारांचे व्यासपिठ आशिल्लें
आवाज - संवाद आशिल्ले
स्वाभिमान आनी सवसकायेची शिकवण
मना - मनांत रूजलेली
एकूण ग्लोबलायझेशनचेंच चित्र दिसतालें
आवाजांत आवाज घुस्पले
आनी एक गीत सगळ्यांनी
एकाच सूरांत गायले
एकाच गळ्यान
तरीय आमी संवसाराक वांचोवक शकलेना

थंयच जालो अधर्म आनी अनीतीचो मात
स्वार्थाचे विखाणु शिरंतरांत पसवले
आनी सुरू जाले शक्ती प्रदर्शन
रासायनिक अवजरां मेरेन
तरीय सैमान राखलें आपलें संतुलन
पाशीयेन कावार जायसर

थंय आशिल्ली म्हाद्वीपां
आनी सुनामीचें म्हातांडव
मागीर संवसाराचें किदें जालें ही हकिकत
त्या रूद्र खीणां इतली
त्या घटने इतली
आनी त्या काळा इतलीच अज्ञात जाली.

●●

लक्ष्य

एका कवीक जेलींत बंद करपाक सामकें सोपें
ताका फारान मारपाक ताच्याकूय सोपें
पूण तुमकां खबर ना
कवीच्या मरणान शब्द मरंनात ते !

कवी उधळयत आसता
तुमच्या नाटकांचे नागडे नाच चव्हाट्यार
मानवतेच्या मुलभूत हक्कांचे आरक्षण करपाक
तरीय घोटाळ्यांच्या ह्या देशांत
एकूय संसदीय प्रतिनिधीक फांस आवळूंक शकलीना
भारतीय दंड संहिता
हेंवूय जाणां कवी
तरीय कवी वाडयत आसता
मनांत सोंसून धरपाची ताकद भरपी
राग आनी तिरस्कारांचें मोज - माप
कित्याक जाणां,
राग आनी तिरस्कार ह्या कलाकारांक
जीवे दवरपाच्या संजीवनीचें काम करता
आपल्या जल्मसिध्द अधिकारांक आपणावपाखातीर
जे दुसऱ्यांचे अधिकार बळजबरीन घेतात
ते तुमच्या अधिकारांचेर आपलो धंदो थाट्टात

'धंदो कित्याक :
पोट भरपाक
'पोट कित्याक ?'
'पावटी बांधार फोडपाक'

कविता दिवक शकना घर - दार, भाट - भेंस
वा पोटभर जेवण
भुरग्यांक गरम कपडे
वा बायलेक सिल्क साडी आनी गाडी
ती फक्त तुमच्या शिरंतरांनी घोळत रावन
तुमच्या जाणिवांक मळबायेदे करता
मायभूंयेची तांक सिध्द करून
स्वाभिमानान जगूंक शिकयता

कवीच समझूंक शकतात
दूबळ्यांच्या बेआवाज शब्दांभितर देंवोन
तांच्या वेदनांचो आर्तनाद
म्हणोन म्हणटा कवीक फारान मारून
तुमी कांयच सिध्द करूंक शकचेनात
कवीच्या मरणान ते खूपूच चाळींक पडटले
आनी एक बंड वाडत वयतलें
कवीच्या जिणेच्या वर्सांच्या गतीन
ताच्या विचारांच्या परिवर्तनाचो सांगांत घेवन

ते बांधून घेतले आपल्या शब्दांच्या रथाक
सूर्यतेज वाडोवपी अणभवांचे घोडे
आनी तांच्या पांवलांत मनशांचो चुमो घेवन
आपल्या दोळ्यार विनाशवेधी दुर्बिणी चडोवन
देवदत्त, पौंड्र, अनन्त विजय, सुघोष,
मणि पुष्पक, पांचजन्य फुंकित रावतले
मळबार अधिकार गाजोवपी गेरांच्या काळ्या कूपांक

साद घालीत
पूण तेन्ना मात गीतेचे पुनर्लोकन घडचेना
तेन्ना तुमी किदें करतलें ?
खंय वयतले ?
जितले धांवता तितली जमीन तुमकां कमीच पडटली
शकचेना तुमी पावक तुमच्या स्वीस बँकी मेरेन
शकचेना तुमी पाकिस्तानातूय स्थायिक जावपाक
आमच्या भावनांक हात घालून
आनी ओसामाच्या आधाराक सोदता सोदता
पांजऱ्यात फारावल्ल्या शिंवा सारखें सध्दामचे जिणें
तुमकां भोगलें बगर रावचेंना
शब्द सगळ्याक हाजिर आसतले

शब्दां सावन पळ काडप इतलें सोपें नासता
कवीक फारान मारपाइतलें तर नासताच नासता
तेन्ना शब्द सिध्द करतले
कवीक फारान मारून शब्द मरनात
कवीच्या रगता वांगडाय शब्द व्हांवोन वचनात
रगत वायफळ जाव येता शब्द न्हय
कवीच्या आत्म्याक आंगार चडोवन
ते वावरत आसतात
म्हणोन म्हणटा,
पळयात कवीच्या दोळ्यांत दोळे घालून
ताच्या नदरेच्या तोंकार ताचे लक्ष्य बसलां
ताच्या ह्या लक्ष्याक पुसपाचें जर तुमी यत्न केले जाल्यार
तुमच्या पुसपाक कोणूच न्हयकारूंक शकचोना

(संदर्भ : निकोला वाप्तसारोव (१९०९ -१९४२), बल्गेरिया)



घोळ

हांव पळोवंक शकतां तुजेमेरेन
म्हज्या नदरेक शृंगाराची आर्का लावन
घडये तुज्या आदिरूपांत मरगाद सपनांचे दिकांतर करून
हुलपावन गेल्लो वसंताचो सिझनल पास घेवन
म्हज्या सपनांतल्यान देवून हांव
तुज्या कुडीच्या गुपीत अंतस्थ जागेंत पावता
आदिम सनातन जवळीकतेच्या दरवात्त्यांतल्यान
तुजे सैत उघड्या सचैल सैमांत
म्हज्या चालू नदरेचो शृंगार देवोन
हांव चडयतां तुज्या दोळ्यांचेर
तुज्या अहंकाराची सगळी कुंडलां निखळावन
उतरांच्या सोबीत सुंदर सैमभूल दोंगुल्लेर चडोवन
मळबाच्या उंचायेक होरयता
जंय आमच्या शिरंतरांतल्यो रगताच्यो शीरो
गरम जातल्यो सचेत वोल्कानोच्या मस्तेंतल्यो
मनांतलो ज्वालामुखी आनी आंगांतलो भूयकाप
रगतांत देंवोन माजयतलो चक्रीवादळाचो सांवार शिरंतरांत
चंद्र नाचतलो अर्धनटेश्वराच्या भुमिकेंत
रात देंवतली सपनांतल्या दोळ्यांत सुरमा घालून

आनी चलतलो थंय एक म्हासंभोग
बसतले चिरीमिरी किर - मोर
तुज्या थानांग्राचेर
जंय फुलोन येतले चिरशांतीच्या निर्मणीच्या
विश्वाचें सनातन कमळ
तुज्या बोंबलेच्या देंठांतल्यान
ब्रम्हांडाच्या क्षीर सागरांत
जंय तूं पळोवंक शकतलें आरपार
आनी खेळूंक शकतलें
आदिम कामसुत्रांतली रासक्रिडा
नव्या आसनांच्या नव्या जाणिवांच्या
रंगांच्या मिलनोत्सवांत
अजिंठा युग आनी मद्ययुग
इतिहासाच्या ह्या समेळांत
आमकां सोदचें पडचेंना आमचें कर्तृत्व
त्या रंगानीच शिंपड तूं तुज्या उमेदीचो उजवाड
तुज्यांतल्या अनाकलनीय जुवानपणार
तेन्ना तुज्या दोळ्यांतल्या लख्ख उजवाडांत
दिसतलें तुका घडये अपुरबायेन सांबाळून
दवरिल्ल्या उभ्या जल्माचें गुपीत
तुज्या रुंवारुंवांत आयकतलें तूं शाश्वतेचो घंटानाद
आनी चलतलें तुज्या आत्म्याचें अभ्यंगस्नान
तेन्ना घडये तूंवूय करतलें वासपूस नव्या वसंताची

म्हजी वाट तुजेमेरेन सोंपतकच
नांगरोन गेल्ली आसतली सगळी भूंय
म्हज्यांतल्या तळपत्या सूर्याच्या खरान
आनी तुज्या आंगाचें सूर्यफूल चलूंक लागतलें म्हजे दिकेन
पायांशिवाय...
असो काळजांत पावस खेळूंक लागता

आनी जागे जाता रंध्र - रंध्र शिरशिरून
मळब, दर्या ही चराचर सृष्ट आपली आसता
वोंठावयले गीत एकठांय जाल्लें गुणगुणावंक
उभ्या जिणेचें.

जल्म
मरण
समांतर सपन ...
किदें जाता सपनां सांडटगीत
शिंपडटा काळोख सगळ्या वाटेर
फुटलेल्या मळबांतल्यान
दिसचना वाट दीस चलपाची
भिरमूटी लेगीत धुंवना खयच.
हालना पान.
सोंपोंन उरता बेजारसाण जिवीत संगीत
उरताच क्षितिजाच्या मुखामळार जाल्ली जखम
अश्वत्थाम्याच्या घाव्या सारखी भळभळत
आनी गळून पडटा कात आत्म्याची
चिंतून किदें मेळटा
जाता फक्त टेन्शन
पळोवन किदें मेळटा
जाता विकृत मन
तशें झंवून पूण किदें मेळटा
खाज तर उरताच देंगातल्या दुखण्यांत
ययातीच्या अतृप्त भोगाची ...

मेळटा अनादि अनंतांतलो श्वास
नदरेंत भरता चिरशांतीच्या झाडाक हुमकळपी सवसकाय
सर्वस्पर्शी मरण चंद्र जावन शेणत वयता
तुडुंब भरिल्ल्या न्हंयत

मेळटा अनाथ खिणांचो अणभव
आनी तांकद पृथ्वीचोय बदलपाक रंग
तेन्ना मनाच्या कॅनव्हसार रूपकाराक येता
संभोगांतल्यान समाधीकडें व्हरपी बाबा रजनीश

तुज्या काळजांत हांवें सोदलोना म्हजो अस्त
म्हाका अणभवपाचें आशिल्लें
मायकल एंजेलोक सिध्द करपीं सेंट पीटरचें प्रार्थनागृह
पोर्सिलेनचें शिल्प 'मायकल जॅक्सन अँड बबल्स'
यमुनेच्या न्हंयत आपल्याक नियाळपी शिल्पांतलो ताज
फातरांक जिवे करून 'द कॅथेड्रल ' साकारपी
ऑगुस्त रोंदँ
आनी ह्या सगळ्या फाटल्यान उभी आशिल्ली तांची तांक
म्हणोनूच तुका सोदतां - सोदतां तुजी जीण
म्हज्या काळजाच्या ओलसाणीन बांदीत गेलो
मरणाच्याकूय श्रेश्ट मोग
हाचीच प्रचिती दिवपा खातीर.



अग्नी

उदेंते सावन अस्तमते मेरेन
दरेक संस्कारांच्या उजागराखातीर
दरेक संस्कारांच्या पुर्ती मेरेन
तुजी पुजा मांडटना
तुका प्रगट करतना
एक शुध्दीकरण म्हज्यांत घडत वयता
'स्वाहा' 'स्वाहा' च्या मंत्रघोषांत
ताणेंच केली ही अग्नीची निर्मिती
सगळें खावपी ... गोबोर करपी ... चित्त वगडावपी
मनांतल्या अंतराळांतलो सुशेग निखळावपी

जनविश्व धोतका, दुश्ट सूर्याच्या म्हाभागा,
हांव वळखता तुका
सार्वभौम काळखाक नानपयत करपाक चलिल्ले
व्यार्थ तुजे म्हायत्न
गिरे - नखेत्रांनी अंतराळांतलो तुजो आसपाव
सूर्य किरणांतल्यान नखेत्रांच्या उजवाडांतल्यान

दीस - रातींक ज्योतिर्मय गर्भवस्त्र चडोवन
तुजें आसप जाणवत रावता
सूर्य कुलांतलो तुजो जल्म तसो त्या अंतरिक्षांतल्या म्हास्फोटांतलोच
म्हणोनूच युगांच्या बेभरवंशाचो अंदाज घेवन केलें तुजें मंथन
वेळा काळाच्या भानार येवन नियतीन भरली तुजी कुड
आनी केलो तुका सर्वश्रेश्ट
दिवन विषामृताचें अग्नी वरदान
तेन्ना सांवन कोंमेस जालें तुजें तांडव
दंडकारण्याच्या चौदा वर्सा उपरांतूय न्हिवलो ना तू
खांडव वनाच्या अस्तित्व अस्ता उपरांतूय हुलपत रावलो तू
केन्ना राणी पद्मिनीच्या तर केन्ना रूपकूंवरच्या
चितेंत जळत रावलो
केन्ना कनबाकोनमच्या श्रीकृष्ण स्कूलांत
तर केन्ना गोध्राच्या साबरमती एक्सप्रेसींत
केन्ना उब्या शेताच्या पिकांत
तर केन्ना निकटो ग्रास फायर जावन
वन्य जीण काबार करीत भूंयेक नागडी करीत गेलो
फक्त गोबोर फाटल्यान दवरून
स्वार्थ आनी हांवेसाच्या पायतळां कोसळटना
तुजे रंग बदळत गेले दरेक संहारा उपरांत
न भागपी तुजी भूक वाडत गेली
आनी सजत संवरत गेलो विध्वंसाचो म्हारूक
आनी मानवतेच्या नियतीची लत्तरां
त्या म्हारूखाक हुमकळत गेली
तरीय उगडले खंय तुमचे दोळे
अग्नीक अग्नीच्या रूपान पळोवपाचे
तुमी तर ताच्याच रंकाच्या वायूंक एकठांय करीत रावले
दोन हायड्रोजन आनी एक ऑक्सीजन ...
आनी उदकाच्या विज्ञानांत थंडसाण सोदीत रावले
कोण जातलो शांत त्या थंडसाणेन .. आनी कशें ...?
तुमी परत मांडटले अग्नीची पुजा अग्नीच्याच आधारान

आनी उदक माथ्यावयल्यान व्हांवून वयतगीर कळटलें
शून्य अदीक शून्य इक्वल टू मोठे शून्य
हें जाणां जावनूय तळपट्या उन्ताच्या रेंवेंच्या कणांक
पांयापोंदा धरून वाळवंटाच्या तोंकार वसलेली सगळीं घरां
मृत उंटांक खांदार मारून चलूंक लागतली
वाळवंटाच्या मोदेल्ल्या वाऱ्याक अदाशाभशेन खायत

दीस भराचो तुजो तळतळाट सोंसून रातीचेय उजळटले तुका
'दीपज्योतिर्नमोस्तुते' म्हणत
हे कामेच्छेच्या माते कोण पळोवक शकलो तुजे अंतरंग
पूण तुका अनवळख्याक कुशींत भरी नासतना
जल्मलोना अग्नीचो नवो पिंड...
भंगलीना श्रध्दा अग्नीसाक्षीची
सजयलीना सेज म्हासंभोगाची
सुरवातीसावन अंतामेरेन अग्नीचेंच सुंवाळें ...
जाण्ट्या - नेण्ट्यांच्यो आहुती दिवनूय न्हिवलीना तुजी आस
थांबलोना तू अग्नी परिक्षा घेवनूय
आनी म्हाभारत युध्दाच्या ३६ वर्सा उपरांतूय
एका म्हायुध्दान न्हिवलीना गरमी म्हण
पयल्याच म्हायुध्दांत रोंवन उडयली बीजां दुसऱ्या म्हायुध्दाची
तरीय आमी सोंसलें, कित्याक जाणां ?
तूं आमकां भेटत आयलो वोंठावयलें सुख जावन
तुज्या कृपादृश्टीन आमी भरली आमच्या पोटाची चूल
परतीली रात भाकरेच्या चंद्रान
आनी खूपसो उजवाड दोळ्यांच्या कवडूलांनी
आमच्या मोजमापान घडये आमचीच मारपाक
म्हण तू तुजेर चलयल्ल्या सत्तेच्याच हातांत रिगलो
त्याच सत्तेन जाळून उडयली आमची घरादारां
तुज्या यज्ञकुंडांत पडत गेली आमच्या जिणेची समिधा
हुलपावन उडयले आमचे कश्ट
घेतले हिसकावन आमचें स्वातंत्र्य

आनी केले गुलाम अंधश्रध्देच्या छत्र छायेंत
एका - एका अग्नीकांडाचो सर्वसाक्षी जावन
तरीय आमी दडोवन दवरली पोटांतली भूक
दंडांतले कश्ट गळ्यांतली तान आनी दोळ्यांतलें दुख
सोशिकतेचो म्हाअंत करून

धडधडत जळत रावपी ज्वलंत मृता
तुवें दवरली ना अगणीत तुजी ज्वालागृही दृश्ट
तांच्या सत्तेच्या आशेर
दुस्वासान भरील्ल्या तांच्या स्वार्थाचेर
आनी अय्याशींत मोदेल्ल्या तांच्या व्हडपणाच्या गिरेस्तकायेचेर
तांका जाणवंसर
तू तयार करीत रावलो ययाती, इडीपस, मुसोलिनी
दोशी करपाक मातयेची काळजां
आनी गावक स्मशानगीतां
म्हणोनूच तुजी गरमी आनी उरमी शिवशिंवत गेली
मरणाच्याकूय मुखार
आनी एका पुर्वानुमानांत पेज थ्री संस्कृतींत गाळून उरील्लो
तुज्या स्वरूपांतलो प्रलय, म्हाप्रलय मूळ धरतना दिसलो
तेन्ना एल्पस ,प्रेरेनीज, माच्चू - पीच्चूच्या दोंगराच्यों दोंगुल्ल्यो
लेगीत स्लो पोयजनांतल्यान गळून वयतल्यो
तेन्ना गांधीच्या अहींसेची आनी आइन्स्टीनच्या
पश्चतापाची खरी गरज भासतली

हे काळीज नाशिल्ल्या काळीजहीन देवा,
परत कर आमची उभी पिकां
आमची घरां दारां
परत कर आमच्या शेतार घसघसून देंवपी आमचो पावस
गुवाडेंतल्या वाऱ्यार लेगीत उडोन गेल्ले
आमच्या भुरग्या बाळांचे आक्रोश
मिटोन उडय तिश्टोवणेंत उबी आशिल्ली युगा युगांची भूक

सुस्वरांची बांसरी परत वोठांर थिरोंवदी
परत येवदी भरती यमुनेक
उगडोंव दी बंदखणीची म्हादारां
सर्वसामान्याखातीर खीणा खीणांत मरपी युनानी सभ्यतायेचो प्रॉमिथस
बंदमुक्त जावन घालूं दी प्रदक्षिणां संवसाराच्यो
युरी गागरीना वांगडा

मेळोवदी तुजो सर्वस्पर्शी वांगोड डेनियल पर्लाक
सोपव दी आमच्या जिणेंतली सहाराची वाळवंटां
आनी जांवदी गर्भपात
ह्या अगाध गहनतेंत रोंयिल्ल्या दुखांचो

तू अग्नीसाक्षी सत्य-त्रेता-द्वापार कलीयुगाचो
कलीयुगाच्या ह्या निमण्या पर्वांत
जांवदी तुजो आनी तुजोच सर्वस्वी भौमान
आसूंदी तुजें जगप मरप आमचेच खातीर
आसूंदी तुजें शांत सुखमय स्वरूप
शमीच्या म्हारूखाच्या खोळींत सुखरूप
जाका सोदीत आयल्यात ही युगां
जिवीतभर ताप सोंसून अग्नीचेच अभिशाप भोगून
हें आंग थंड पडटलें
तेन्ना तेंवूय वयतलें अनंताच्या यात्रेक
तुज्या विधिंचो भरगच्च कार्यक्रम घेवन...

(पयलीं बरयल्ल्या अग्नी कवितेचो असोय एक रिमेक)



हे माँ, हांव हिरोशिमा

तेच आघात
तेंच मरण पळयतना
आनी त्या वैज्ञानिक नराधमांचो निशेध करता करता
मेळ्ळो एक दीस एडर्वड टेलर
प्रेसिडेंट ट्रूमैना वांगडा शिखर परिशदेंत, शून्य वेळार
तेन्ना विचारलें ताका बम विकसित करपाचें कारण
ताणेंय दिली जाप शून्य वेळार
मानवतेची लक्तरां खांदार उडोवन
'तो एक विशुद्ध विज्ञानाचो मौलिक प्रगतीचो पांवडो आशिल्लो'
मागीर ॲटोमिक आक्रमण.....?
'ती एक सैनिकी कारवाय आशिल्ली'
प्रेसिडेंट उलयलो मानवतेची गोमटी मुरगूटून
पूण कित्याक...
भूमध्य सागरांत मुसोलिनी उध्वस्त जाल्लो
सोविएत सैन्यामुखार हिटलर आनी ताचो बर्लिन
दिमयों तेंकोन इवा ब्राउना वांगडा आत्मसमर्पणान मेकळो जाल्लो...
आनी मागीरच्या मोनेपणांत फक्त म्हज्या मोनेपणांतलो आकांत उरिल्लो
काळजांतल्या वसंताच्या ध्यासान ओंजळींत घेवन हावें पळयली
उल्ली-सुल्लेली मानवतेची लक्तरां

हे माँ, हांव हिरोशिमा....
अजून जिवो आसा मानवतेच्या तडीक लागोन उरिल्लो ‘हिबाकुशा’
म्हज्या पिंजलेल्या शिरंतरांचे दस्तावेज घेवन
म्हज्या उणिवांचे, म्हज्या वांकड्या पडिल्ल्या पावलांच्यो चूको सोदपाक
झीरो ग्राऊण्डाच्या आदि स्मृतींत देंवतना सगळें विरघळून वयता
तेन्ना दिसता एक नीस ग्लोबलायझेशन आनी मानवतेचो
तरीय खंयच कांय जुळना, वाडटा फक्त खंत
साठ वर्सां येद्या खवळपी न्हिदेंत लेगीत

दर एक वस्त मोनी आसा शिंपडोवन
आनी म्हज्या हड्ड्यांतल्यान एक-एक वादळ उठत आसा
त्या तळमळ्यानीय पळयता हांव म्हज्या मांसाचो गंध
विनाशाच्या गोबरांत न्हिदिल्लो
आनी म्हजी उबी वास्तु फातरांच्या चिरमुल्यांनी चिणलेली
हे माँ, हांव हिरोशिमा...
म्हज्या सपनांच्या कानांत अजून लेगीत गाजता तो म्हास्फोट
दिसता मळबाची रुंदाय घेवपी मशरूम क्लाऊड
धुल्लाच्या गळ्यांत चिड्डलो आकांत
वाऱ्याक पेटलोलो उजो
सूर्याच्या खरायेची फांट धरपी तापमान
जमनीच्या कुशींतल्यान खळखळपी रगताच्यो न्हंयो
तकलेवयल्यान व्हांवपी भिरांतींत
विरगळून गेल्लें म्हजें हांसप
मळबानूय हड्डे बडोवन रडचें अशें
हे माँ, हांव हिरोशिमा....

हांवें पळयल्यात अटी, संधी पत्रां आनी ठरावांचे दस्तावेज
गुपित बसकांच्या अणविक यज्ञांनी सत्तेच्यो शिमो थरयतना
म्हका अदमास आशिल्लो
लोस - अलामोसच्या प्रयोग शाळेंत चलपी
म्हाविध्वसाच्या निर्मितीचो
अलामार्गोर्दोच्या रेंवटांत जाल्लो सफल परिक्षणाचो

म्हाका दिसतालो रोबर्ट हाइमरचो विसृवास
जॉन मॅनलीचें समर्पण
आनी फर्मीचें संतुलन
पूण दिसलेंना म्हाका ट्रूमैनच्या काळ्या अंतकरणांतली
मानवतेची अधोगती
दिसलीना म्हाका दिश्टावल्ल्या म्हज्या नस-नसांतल्यान व्हांवोन
वायफळ जांवपी म्हज्या रगताची धार
साम्राज्यशायेच्या क्रूरकर्मीच्या त्या रोजशाही रस्त्यावेल्यान
मड्यांचेर शेक गाजोवपी विश्व विजेत्याचो झेत
हांव पळोवक शकलो त्या धमाक्या उपरांत
म्हज्या प्रायोजित मरणाच्या खोशेंत
नाचपी सत्ताबाज हिजडे
हांव पळोवक शकलो मानवतेक वेठीक धरप्यांच्या राजधानींत
सफल प्रयोगाच्या म्हज्या विध्वंसाचो बारावो मनयतना
र्निवंशतेचे पुजारी
हे माँ, हांव हिरोशिमा.....

म्हज्यांतल्या दृढ विसवासानूंच हांव जीवो आसा
ओटाच्या उदकाचो सैम घेवन
नव्यान बांधून मना - मनांचो पूल
मनगटांतल्या मंत्रांनी उबी करून मनशांची गांवां
बुजांचेर सूर्याक कोरांथून मातयेंत मळब रूजोवपी म्हजो रक्त घट
पृथ्वीयेच्या म्हज्यांतल्या मनशांची महती सांगपाक
आनी भविष्याच्या उत्तराधिकारांच्या बंद मुठींत
स्ट्राशन ९० चो शाप चिड्डून
शिरंतरांतल्या दिश्टाव्याक अर्थ दिवपी सृजनकोंब
हे माँ, हांव हिरोशिमा....



ब्लॅक

निंलबा अ. खांडेकार
निंलबा अ. खांडेकार
निंलबा अ. खांडेकार
निंलबा अ. खांडेकार

